# कोंकणीं कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास

# [Konkani Kathenthlea Panch J'ancho Abhyas]

A Dissertation for

Course code and Course Title: KON-650

Credits: 16

Submitted in partial fulfilment of Masters Degree

MA in Konkani

by

**Ms. Venisha Costa**

Seat Number: 22P0180038

ABC ID: 957376077816

PRN: 201820218

Under the Supervision of

**Dr. (Ms.) Ramā Murkunde**

Shenoi Goembab School of Languages and Literature

Discipline of Konkani

**Goa University**

**April 2024**

Examined by:

Seal of the School

# DECLARTION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitles, **"कोंकणीं कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास"** results of investigations carried out by me in the Discipline of Konkani at the Shenoi Goembab school of Languages and Literature, Goa University under the Supervision of Dr. (Ms) Ramā Murkunde and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree or diploma by me. Further, understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations / experimental or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation on the dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Ms. Venisha Costa

Seat No: 22P0180038

Date: 16, April 2024

Place: Goa University

## COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report **"कोंकणीं कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास"** is a bonafide work carried out by Ms. Venisha Costa under my supervision in my partial fulfillment of the requirements for the award of the degree of **Masters of Arts** in the **Discipline of Konkani** at the Shenoi Goembab School of Languages and Literature, Goa University.

Dr. (Ms) Ramā Murkunde

Discipline of Konkani

Date: 16, April 2024

GOA UNIVERSITY
SHENOI GOEMBAB SCHOOL OF LANGUAGES & LITERATURE
TALEIGAON PLATEAU

Prof: Anuradha Wagle

School Stamp

Date: 16, April 2024

Place: Goa University

# प्रस्तावना

कोंकणी कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास हो संशोधन वावर करतना सैमाचे पांच घटक 'जल', 'जंगल', 'जमीन', 'जन' आनी 'जनावर' हांचे प्रस्न आनी तांचेर जावपी परिणाम कोंकणी कथेनी कितले प्रमाणान प्रतिनिधित्व जालां हें जाणून घेवप हो ह्या सोद वावराचो मुखेल उद्देश.

प्रस्तूत सोद वावर पांच प्रकरणानी विभागला. पयल्या प्रकरणांत, विशयाची प्रस्तावना, हेतू, आवाठ, मर्यादा, संशोधन पद्दती तशेंच प्रकरणाची मांडणी नमूद केल्या. दुसऱ्या प्रकरणांत समिक्षेच्यो व्याख्या आनी स्वरूप , प्रकार आनी प्रवाह मांडल्यात. तिसऱ्या प्रकरणांत साहित्यांतले पांच ज, कथेच्या रचणुकेंत पर्यावरणाची भुमिका आनी पर्यावरण आनी मनशाचें नातें हांचे विशीं खोलायेन मांडलां. चवथ्या प्रकरणांत अभ्यासाक घेतिल्ले वेंचीक लेखकांची वळख थोडक्या भितर मांडल्या जाल्यार पांचव्या प्रकरणांत कोंकणी कथेचें पांच ज'आंच्या प्रमाणे वर्गीकरण करून विश्लेशण केलां. निमाणे कडेन समारोप आनी निश्कर्श मांडला.

हे प्रबंधिके वरवीं वाचप्यांक पर्यावरणीय समिक्षे विशीं अदीक म्हायती मेळटली तशेंच पर्यावरणाक पळोवपाची नदर बदलती. वाचप्यां भितर इबाडटल्या पर्यावरणा विशीं जागृताय वाडटली.

# मनोगत

हांव सगळ्यां पयलीं गोंय विद्यापीठाचे उपकार मानतां, गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू, सि.प्रो. हरिलाल मेनन तशेंच कुलसचीव, सी.प्रो. व्ही.एस. नाडकर्णी हांकां हांव मना सावन देव बरें करूं म्हणटां.

गोंय विद्यापीठाचे शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशालेचे कोंकणी अध्ययन शाखेचे संचालक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणी सतत योग्य सल्ले दिवन उर्बा आनी प्रोत्साहन दिल्ल्या खातीर तांकां नमळायेन दिनवासतां.

जेन्ना मार्गदर्शक उपलब्ध नाशिल्लो तेन्ना स.प्रा. डॉ. रमा मुरकुंडे हांणी म्हाका तिच्या मार्गदर्शना खाला घेतलें आनी पुराय प्रबंधांत लागता तितलो आधार दिवन तो वेळार सोंपोवपाक आदार केलो. तिच्या मार्गदर्शना आनी मजती खातीर तिचे चडांत चड उपकार मानतां.

सोद वावर करतना म्हजो सांगात सदांच दिवपी म्हजीं घरचीं , तशेंच म्हज्या पुराय प्रबंधांत म्हाका सतत आदार दिल्ल्या खातीर किगन फेरांओ आनी वैभव माजाळीकार हांकांय दिनवासतां.

पर्यावरण आनी मनीस कथेंत कसो चित्रायला हाचें संशोधन करतना हांव खूब शिकलां अशें म्हाका दिसता. हो मोलादीक संशोधन वावर  हांव म्हज्या फुडल्या शैक्षणीक वावरांतच न्हय तर म्हज्या पुराय आयुश्यांत मोगान सांबाळटलें.

कु. वेनिशा कोस्ता

थळ: गोंय विद्यापीठ

## सारांश

फाटल्या कांय दशकांत पर्यावरणांत बदल घडिल्ल्याक लागून मनशाक तशेंच धतरी आवयक व्हड धोको निर्माण जाला. सैमीक संपत्तीचो व्हड प्रमाणांत गैरवापर जाल्ल्यान मनशाच्या जिवाकच न्हय तर हेर जिवांकय धोको निर्माण जाला. हे परिस्थितींत विसाव्या शेंकड्याच्या निमाण्या दशकांत पर्यावरणाचेर बरोवप आनी वाचन करप खूब प्रमाणान वाडलें.

कोंकणी कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास करपाक कोंकणी मळा वेले पांच लेखक वेंचिल्ले. ते म्हळ्यार पुंडलीक नायक, दामोदर मावजो, महाबळेश्वर सैल, जयंती नायक आनी प्रकाश पर्येंकार. निवडिल्ल्या लेखकांचे सगळे कथा संग्रह वाचून तातूंत 'जल', 'जंगल', 'जमीन', 'जन' आनी 'जनावार' ह्या घटकांच्या आदारान कथेंचें वर्गीकरण केलां. कांय कथांनी पर्यावरण वातावरण निर्मिती खातीर वापर केला. पूण ताचो पर्यावरणाच्या पांचूय घटकांचेर परिणाम जाल्लो दिसना त्या खातीर अशा विश्याच्यो कथा सोद वावरांत घेतिल्ल्यो ना. ह्या सोद वावरा खातीर वर्णनात्मक पद्दतीचो वापर केला. कथेचें वर्णन आनी विश्लेशण केल्लें आसा. कथा संग्रह तशेंच 'जाग' ह्या म्हयन्याळ्यांत येवपी लेख हो सोद वावर पुराय करपाक वापरल्यात.


**साररूप उतरां:** पर्यावरणीय समिक्षा, जल, जंगल, जमीन, जनावर, जल

# तकटे


| **तकटो क्र.** | **माथाळो** | **पान क्र.** |
|---|---|---|
| 5.1 | पांच  ‘ज’ प्रमाण वेंचीक कथांचें वर्गीकरण | 40 |
| 5.2 | वेंचीक कथाकार आनी तांचे कथासंग्रह | 41 |

## मांडावळ


| प्रकरण | विशय प्रवेश | पान क्र. |
|---|---|---|
| 1 | 1.1. प्रस्तावना | 1- 8 |
| | 1.2. संशोधन प्रस्न | |
| | 1.3. अनुमानीक प्रतिज्ञा | |
| | 1.4. अभ्यासाचीं उद्दिश्टां | |
| | 1.5. अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा | |
| | 1.6. साहित्य नियाळ | |
| | 1.7. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय | |
| | 1.8. प्रकरणाची मांडावळ | |
| 2 | **समिक्षा आनी साहित्य** | 9-17 |
| | 2.1. समिक्षा- व्याख्या आनी स्वरूप | |
| | 2.2. समिक्षेचे प्रकार | |
| | 2.3. समिक्षेचे प्रवाह | |
| 3 | **साहित्य आनी पर्यावरण** | 18- 27 |

3.1. साहित्यांतले पांच ‘ ज’

3.2. कथेच्या रचणुकेंत पर्यावरणाची भुमिका

3.3. पर्यावरण आनी मनशाचें नातें

**4** **अभ्यासाक नियाळिल्ले कथाकार** **28-38**

4.1. पुंडलीक नारायण नायक

4.2. दामोदर मावजो

4.3. महाबळेश्वर सैल

4.4. जयंती नायक

4.5. प्रकाश पर्येकार

**5** **अभ्यासाक नियाळिल्ल्या कथेंची पर्यावरणी मोलावणी** **39-73**

**5.1. पांच ज’आंच्या नदरेंतल्यान**

5.1.1. जल

5.1.2. जंगल

5.1.3. जनावर

5.1.4. जमीन

5.1.5. जन

| | | |
|---|---|---|
| **6** | **समारोप आनी निश्कर्श** | **74-77** |
| | **संदर्भ.** | **78-82** |

# प्रकरण 1: विशय प्रवेश

## 1.1 प्रस्तावना:

हे धर्तरेचेर रावपी सगळे जीव पर्यावरणा खाला येतात. ते जांव जमनीचेर वा उदकाचेर पूण ते पर्यावरणाचेच भाग. वातावरणांत हवा, उदक, सुर्याचो उजवाड, वनस्पत, जनावरां, आदी हांचोय आस्पाव जाता.

सैमांत आस्पाविल्लीं झाडां, न्हंयो, मोनजात, मनीस अशा सोबीत घटकां सयत सैम धर्तरे आवयक खरी सोबीतकाय दिता.

सैम म्हणटना कोंकणी साहित्यांत सैमाचे वेग- वेगळे घटक आमकां पळोवंक मेळटात. ह्या घटकांचें पांच भागानी वर्गीकरण केल्लें आसा. ते म्हणल्यार 'जन', 'जल', 'जंगल', 'जमीन' आनी 'जनावर'. ह्या पांचूय घटकाच्या नदरेंतल्यान सैम कोंकणी साहित्यांत कसो चित्रीत जाला हें सोदून काडप ह्या प्रबंधिकेचो मुखेल हेतू. पर्यावरण हो असंख्य कवींक, लेखकांक, कलाकारांक आनी हेरांक प्रेरणा दिवपी. सैमांतल्यांन साहित्यकारांक कविता, कादंबरी आनी कथा अशे साहित्य प्रकार बरोवपाची प्रेरणा मेळटा. ह्या पांचूय घटकांच्या आदारान लेखकांनी निसर्गाक आपल्या साहित्य कृतीनी फावो तो मान दिल्लो आसा काय ना तें सोदपा खातीर हें संशोधन आसा. हे प्रबंधिकेंत कोंकणी कथेंत पर्यावरण कशें माडलां

ताचे प्रस्न , परिणाम , प्रभाव आनी तातूंत हे पांच घटक कितल्या प्रमाणान आस्पावतात हें संशोधन करपा फाटलें मुखेल कारण.

पर्यावरणाची स्थिती कशे तरेन चित्रायल्या आनी ताचें मुल्यमाप साहित्यांत कशें आयलां हें सोदून वा तपासून काडपाक पर्यावरणीय समिक्षेची / परिस्थितकी समिक्षेची गरज लागता.

पर्यावरण-समीक्षा हें विमर्शीक अभ्यासाचें तुळेन नवें क्षेत्र आसा. ताची सुरवात फकत विसाव्या शेंकड्याच्या मध्याक सुरू जाल्या. सैमीक जगा कडेन मनशाचे संबंद सोदून काडपाचेर हो सिध्दांत भर दिता, तातूंतलीं जायतीं आंगां आर्विल्ल्या साहित्यांतूय मेळटात. संवसारीक हवामानाचें संकट जशे जशे वाडत वता तशे तशे पर्यावरणीय टिकेचें म्हत्व खूब वाडलां आनी वाडत आसा. ह्या दृश्टीकोणांतल्यान कोंकणी लेखकांनी पर्यावरण आनी ताचे घटक साहित्यांत कशे चित्रायल्यात ते सोदपाची इत्सा संशोधकाक आसा.

## 2.1 अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

कोंकणी कथेच्या मळार खूब साहित्यीक आसा पूण लेखकांच्या सगळ्या साहित्याचो अभ्यास जावप शक्य ना. देखून पांच ' ज'आंचो अभ्यास करतना देवनागरींत बरोवपी पांच वेंचीक कथाकार अभ्यासा खातीर वेंचून काडल्यात. ताची वळेरी अशी आसाः

- पुंडलीक नारायण नायक

- दामोदर मावजो
- महाबळेश्वर सैल
- जयंती नायक
- प्रकाश पर्येंकार

**3. प्रस्न**

कोंकणी कथेंत पर्यावरणाचे हे पांचूय घटक कितल्या प्रमाणांत प्रतिनिधित्व जाल्यात, मानवी कृतींक लागून पर्यावरणाचेर ताचो प्रभाव परिणामाक जावन ताचेर उपाय काडला काय ना? हो प्रस्न नदरे मुखार दवरून संशोधन केलां.

**4. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय**

1. पर्यावरणीय समीक्षा आमकां आमच्या भोंवतणच्या संवसाराची तपासणी करपाक आनी पर्यावरणा कडेन वागपाच्या समाजाच्या पद्दतींचेर टिका करपाक मार्गदर्शन करतली.
2. फुडारच्या विद्यार्थांक ह्या विशयाचेर अभ्यास करपाक जाय आसत जाल्यार संदर्भाक लागून ही प्रबंधिका वापरूंक येता.

**5. अभ्यासाचीं उद्दिश्टां**

पर्यावरणीय समीक्षा आमकां आमच्या भोंवतणच्या संवसाराची तपासणी करपाक आनी आमच्या सैमा कडेन वागपाच्या समाजाच्या पद्दतींचेर टिका करपाक मार्गदर्शन करता. साहित्यांत लेखकान सैमाचें चित्रण पर्यावरण विमर्शाक नदरेन दवरून केला काय ना हो उद्देश आसा. कोंकणी कथेंत समाजांतलो मनीस आनी पर्यावरणाच्या संदर्भांत कसो वागता आनी कशी प्रतिक्रिया दिता हाचो अभ्यास करप.

1) उद्देगीकरणाक लागून पर्यावरणाचो नाश कथेंत मांडला काय ना आनी कितले प्रभावीपणान मांडला हें सोदप.
2) पांच ज' आंच्या नदरेंतल्यान सगळे घटक कथांनी पळोवंक मेळटात काय ना हाचो अभ्यास करप.
3) कथेच्या रचणुकेंत भौतीक आनी भुगौलीक परिस्थीतीची भुमिका कशी साकारल्या तें तपासप.
4) पर्यावरणीय नदरेंतल्यान आदल्या आनी आधुनीक कथां मदलो फरक सोदप.

## 6. साहित्य नियाळ

भुषण भावे हांणी 2015 ह्या वर्साक ' Study of few novels based on mines with respect to change in life values ( खण-वेवसायाचेर आदारीत कांय कादंबर्यांचो अभ्यासः मूल्य परिवर्तनाच्या संदभाँत)' आपल्या प्रबंधांत ह्या पांच ज- जल, जन, जमीन, जंगल आनी जनावर हांचो उल्लेख केल्लो आसा तशेंच पर्यावरणीय

समिक्षचेर बरयिल्लें आसा. तशेंच तांचें 'साहित्य विमर्श' 2016 वर्सा उजवाडाक आयिल्ल्या ह्या पुस्तकांत पर्यावरणीय समिक्षे विशीं 'भारतीय ललित साहित्यांत पर्यावरणी – समिक्षा' नांवाचो लेख बरयिल्लो आसा.

मारिया ग्लिनीस मॅनडोन्सा हांणी 2016 ह्या वर्साक ' Konkani Fiction In English Translation: A Critical Study' ह्या आपल्या प्रबंधांत 'Ecocritical Perspective's On Selected Konkani Fiction In English Translation' ह्या माथाळ्या खाला हाचेर अभ्यास केल्लो आसा.

पीटर बॅरी हांचें 2018 ह्या वर्साक ' Beginning Theory: An Introduction to Literary and Cultural Theory' चवथे आवृत्तींत पर्यावरणीय समिक्षेचेर लेख बरयिल्लो आसा. तांतूतल्यान समिक्षेची बुन्याद समजुपाक मदत जाली.

**7.अनुमानीक प्रतिज्ञा**

कोंकणी कथांनी सामाजीक, राजकीय, संस्कृतीक , वर्ग, वंश, लिंग, प्रदेश अशे वेग वेगळे विशय हाताळ्यात आनी तांचेर सोदूय जाला पूण सैम आनी पर्यावरणाक केंद्रीत करता तसल्यो कथा तितल्या प्रमाणान तयार जावूंक ना असो संशोधकाचो अनुमान आसा.

**8.सोद वावराची पद्दत**

1) पर्यावरणीय समिक्षेचेर आदारून पुस्तकां वाचप.

2) वेंचीक लेखकांच्या कथांचो अभ्यास पांच ‘ज’आंच्या नदरेतल्यान करप, वर्णन आनी विश्लेशण.

**9. संशोधनाचो आराखडो**

**9. 1. प्रकरणांची मांडावळ**

1: विशय प्रवेश

1.1. प्रस्तावना

1.2. संशोधन प्रस्न

1.3. अनुमानीक प्रतिज्ञा

1.4. अभ्यासाचीं उद्दिश्टां

1.5. अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा

1.6. साहित्य नियाळ

1.7. प्रबंधिकेची उपयुक्तताय

1.8. प्रकरणाची मांडावळ

2: समिक्षा आनी साहित्य

2.1. समिक्षा- व्याख्या आनी स्वरूप

2.2. समिक्षेचे प्रकार

2.3. समिक्षेचे प्रवाह

3: साहित्य आनी पर्यावरण

3.1. साहित्यांतले पांच ' ज'

3.2. कथेच्या रचणुकेंत पर्यावरणाची भुमिका

3.3. पर्यावरण आनी मनशाचें नातें

4: अभ्यासाक नियाळिल्ले कथाकार

4.1. पुंडलीक नारायण नायक

4.2. दामोदर मावजो

4.3. महाबळेश्वर सैल

4.4. जयंती नायक

4.5. प्रकाश पर्येंकार

5: अभ्यासाक नियाळिल्ल्या कथेंची पर्यावरणी मोलावणी

5.1. पांच ज'आंच्या नदरेंतल्यान

5.1.1. जल

5.1.2. जंगल

5.1.3. जनावर

5.1.4. जमीन

5.1.5. जन

6: समारोप आनी निश्कर्श

संदर्भ

# प्रकरण 2: समिक्षा आनी साहित्य

## 2.1. समिक्षा- व्याख्या आनी स्वरूप

साहित्यीक वा हेर कलाकृतींचें विश्लेशण, वर्गीकरण, अर्थ लावप वा मूल्यमापन करपाची पद्दत म्हणल्यार समिक्षा. खंयचेंय बरप वाचून ताचे विशीं बरें - वायट सांगप वा ताचेर टिका करप म्हणल्यार समिक्षा. समिक्षा ह्या उतराक 'आलोचना' , 'विमर्श' तशेंच संस्कृतांतल्यान 'मीमांसा' अशेंय म्हणटात. तशें पळयल्यार ह्या तिनूय उतरांचो अर्थ एकूच जाता. सादारपणान इंग्लिशींत ह्या उतराक आमी 'Criticism' अशें म्हणटा जाल्यार कोंकणींत समिक्षा हें उतर आपणायलां. समिक्षा हें उतर 'सम + ईक्ष' ह्या मूळ घटक उतरांच्या संयोगा पसून समीक्षा हो शब्द तयार जाता. हांगा 'सम' हें उतर म्हळयार पुरायपणान सर्व आंगांनी आनी 'इक्षा' हें उतर म्हळयार पळोवप, विचार करप, पळोवपाची कृती, पळोवप वा पारखप. (कानोळकार, 15)

साहित्यीक समिक्षा अभिजात काळा सावन अस्तित्वांत आशिल्ली. इ.स. चवथ्या शेंकड्यांत ॲरिस्टॉटल (Aristotle) हाणें 'पोएटीक्स' [Poetics] , साहित्यरूपांचें वर्णन विशिश्ट समिक्षेवांगडा बरयलें. काव्यशास्त्रांत पयलेच खेपे 'अनुकरण' आनी 'विरेचन' ह्यो संकल्पना विकसीत केल्यो, ज्यो साहित्यीक अभ्यासांत आयज लेगीत म्हत्वाच्यो आसात. संस्कृतांत आचार्य भरतमूनीच्या 'नाट्यशास्त्रांत' पुर्विल्ल्या भारतीय साहित्याचेर आनी संस्कृत नाटकाचेर साहित्य समिक्षेचो आस्पाव

आसा. लिखीत वा मौखिक प्रवचनाचो शिस्तबद्ध, पद्दतशीर अभ्यास करपाची पद्दत म्हळ्यार समिक्षेची पद्दत. समिक्षेंत  जरी सादारणपणान दोश सोदप आनी नकारात्मक निर्णय करप अशें समजतात तरीय तातूंत योग्यताय वळखपाचोय आस्पाव आसा. साहित्य आसा तेन्ना सावन समिक्षक आसात. आनी समिक्षकेंतल्यान लेखकांक बरें साहित्य रचपाची आनी वाचकांक वेगळ्या दृश्टीकोणांतल्यान वाचपाची प्रेरणा मेळटा. डॉ. किरण बुडकुले हांच्या मता प्रमाणे,

> "समिक्षा म्हळ्यार साहित्याची विदर्णा करपी एक रूक्ष, निशठूर वेव्हार न्हय जाल्यार साहित्याचो आपरोस, ताचो आंगलोट, ताचें एकजिनशीपण आनी ताचो दिश्टावो वाचप्या मेरेन पावोवपी एक संवेदनशील प्रक्रिया" (बुडकुले, 12)

पुस्तका विशीं कोणाकूय मत आसूं येता (बरें , वायट) पूण तें मत पुरावो दिवन ताची मुल्यांकन करपाची तांक ही समिक्षका कडेन आसता. साहित्य समिक्षा म्हळ्यार खंयच्याय साहित्य कृतीचो अर्थ लावप, विश्लेशण करप आनी निवडप.

एनसायक्लोपिडिया ब्रिटेनिकाच्या प्रमाणेः-

> "Criticism is the art of judging the qualities and values of an aesthetic object whether in literature or the fine arts. It involves the formation and expression of judgment"

https://www.britannica.com/topic/aesthetics/Taste-criticism-and-judgment

साहित्यांत वा ललित कलेंत सौंदर्य वस्तूंच्या गुणधर्मांक आनी मुल्यांक न्याय दिवपाची कला म्हळयार समिक्षेची कला. तातूंत न्याय निर्मिती आनी अभिव्यक्ती हांचो आस्पाव जाता.

नामनेचो साहित्य समिक्षक आय.ए.रिचर्ड्स (I.A. Richards) म्हणटा:

> "To set up as a critic is to set up as a judge of values."

हिंदींतले समिक्षक श्याम सुंदर दास हाणीं समिक्षेचें स्वरूप स्पश्ट करीत म्हणलां.

> "साहित्य क्षेत्र मे ग्रंथ को पढकर उसके गुणो ओर दोषों का विवेचन करना और उसके संबंद में अपना मत प्रकट करना आलोचना कहलाता है.... यदि हम साहित्य को जिवन की व्याख्या माने तो आलोचना को व्याख्या की व्याख्या मानना पडेगा." (दास, 6)

हाचो अर्थ , साहित्याच्या मळार ग्रंथ वाचप, ताच्या गुण-दोशांचें विश्लेशण करप आनी ताचे संबंदीं आपलें मत उक्तावप म्हणल्यार समिक्षा.

## 2.2. समिक्षेचे प्रकार

समिक्षक टिका करपा खातीर वेगवेगळ्या प्रकाराच्यो पद्दती वापरता. तातूंतले सगळयांत चड प्रमाणांत वापिरिल्ल्यो पद्दती समिक्षक आपणायता त्यो म्हळयारः-

**1) तुलनात्मक समिक्षा**

साहित्याच्या मळार तुलना करप भोव म्हत्व आसा. तुलना कोणा कडेन जावची हाका बंदन नासता. ह्या प्रकारांतल्यान खंयच्या लेखकाच्या साहित्य कृतींची विशीं विशेशतायो आनी विचारांची तुलना करूंक मेळटा. तुलना चडशे फावट एक सारके गूण आशिल्ल्या वस्तूंचीच जाता. साहित्याचो तुलनात्मक अभ्यास साहित्य समिक्षे इतलोच पोरनो. तुलनात्मक समिक्षेंत राश्ट्रीय मर्यादा, काळ, भास, प्रकार आनी विशय हांचे भायर आंतरराश्ट्रीय पांवड्यार साहित्याचो अभ्यास जाता. एकमेकां संबंदीं एका परस चड साहित्याचो अभ्यास जाता. भावना, भाशा , शैली हांचीय तुळा जाता.

**2) समाजशास्त्रीय समिक्षा**

ही समिक्षेची पद्दत 19 व्या शेंकड्याचे अखेरेक उदेवाक आयिल्ली. राष्ट्र, वंश, जात, कूळ, धर्म, कुटूंब, समाज अशा साबार आंगांचो अभ्यास समाजशास्त्रज्ञ करता. समाजशास्त्रीय समिक्षेंत साहित्यांत समाजीक कार्य कशें चलता आनी समाजांत साहित्य कशें चलता, ह्या दोनूय गजालींचें विश्लेशण करतात. समाजीक समिक्षेंत साहित्याचें समाजा कडेन आशिल्ल्या संबंदाचेर आदारून मूल्यमापन करतात. साहित्य समिक्षेंत लेखकाचो तांच्या समाजांतलो दर्जो तशेंच समाजांतल्या आपल्या प्रेक्षकांचेर साहित्यकृतीचो परिणाम कितलो जालो हाची तपासणी करतात. मार्क्सवादी टिका हो समाजीक समिक्षेचो एक प्रकार

हातूंत समिक्षक साहित्याचो एक विशिश्ट ग्रंथ वर्गवेवस्थेंतल्या जुलूमाची कशी पुष्टी करता वा न्हयकारता हाची तपासणी करता.

### 3) इतिहासीक समिक्षा

इतिहासीक समिक्षेंत समिक्षक इतिहासीक नदरेंतल्यान साहित्य अभ्यासता. हे पद्दतींत समिक्षक ग्रंथाचे रचणुके भोंवतणच्यो घडणुको आनी अणभव समजून घेता, खास करून लेखकाचें जिवीत समजून अभ्यास जाता. इतिहासीक समिक्षेचे पद्दतींत समकालीन परिस्थितींच्या संदर्भांत साहित्याचें विश्लेशण आनी मूल्यमापन करतात. त्या काळांतल्या समाजीक, अर्थीक, राजकीय, तत्वगिन्यानी आनी धर्मीक परिस्थितीचो साहित्य निर्मितीचेर आनी संवादाचेर कितें परिणाम जाला ताचो अभ्यास करतात. हातूंत साहित्यीक निकशां बदला त्या काळांतली परंपरा तिगोवन दवरप आनी त्या युगाच्या धर्माक पाळो दिवप अशा बिगर साहित्यीक मानकां कडेन, ग्रंथाचें मूल्यमापन करपाक चड लक्ष दितात. हे पद्दती खाला ग्रंथाचें विश्लेशण करतना समिक्षक त्या काळांतल्या आनी थळाच्या परिस्थितीच्या संदर्भांत ग्रंथाचे भितरले आनी भायले आंग उक्ते करता. साहित्य आनी युग हांचे मदलो परस्पर संबंद समजून घेवपाचो अभ्यासकाचो लक्ष थारता.

## 2.3.समिक्षेचे प्रवाह

### 1) मार्क्सवादी समिक्षा

मार्क्सवादी सिध्दांत (Marxist theory) हो साहित्यीक विश्लेशणाचो एक प्रकार आसून तातूंत साहित्याच्या कृतींचो मार्क्सवादी नदरेन तपासणी करतात. मार्क्सवादी टिका कार्ल मार्क्स (Karl Marx) हांचे पसून सुरू जाली. 'द कम्युनिस्ट मॅनिफेस्टो' ह्या ग्रंथांत कार्ल मार्क्स हाणें कामगार वर्गाक तांच्या पगार, जिणे पद्दत आनी जुलूमा वरवीं तांचेर लागू जाल्ल्या अन्यायाचेर प्रस्नचिन्न उबें करपाक आदार केलो. मार्क्सवादान हो जायत्या जाणांक प्रगती आनी उत्क्रांतीची सुरवात करपाक आदार दिलो. हे समिक्षेंत वर्ग संघर्श आनी उत्पादनाचे संबंद हीं विश्लेशणांतलीं केंद्रीय साधनां जावन आसात. (Berry, 126) समाजीक, अर्थीक आनी राजकीय तत्वगिन्यान हाचे पसून सत्ताधारी वर्ग कामगार वर्गाचेर अन्याय करता हाचें विश्लेशण मार्क्सवाद सिध्दांतांत जाता. जाका लागून समाजांत गिरेस्तकायेचें आनी विशेषाधिकारांचें असमान वांटप जाता. तातूंतल्यान कामगारांक अन्यायाचो निशेध करपाक उत्तेजन मेळटा. मार्क्सवाद सिध्दांत भांडवलशायी समाजाच्या विचारसरणींचेर प्रस्नचिन्न उबे करपाक प्रोत्साहन दिता. मार्क्सवादी साहित्य समिक्षेंत साहित्य कसो अधिरचनेचो भाग जाता, साहित्य वैचारीक झुजां आनी प्रचाराचें स्थळ कशें जाता आनी संवसारांतल्या वर्ग संघर्शांचें आनी परिस्थितीचें चित्रण कशें करता हाची तपासणी समिक्षक करता.

## 2) पर्यावरणीय समिक्षा

पर्यावरण-समीक्षा हें विमर्शीक अभ्यासाचें तुळेन नवें क्षेत्र आसून ताचे स्थापनेचो इतिहास फकत विसाव्या शेंकड्याच्या मध्याक सुरू जाला. सैमीक जगा कडेन मनीसपणाचे संबंद सोदून काडपाचेर हो सिध्दांत भर दिता, तातूंतले जायते आंग आर्विल्ल्या साहित्यांत मेळटात. पर्यावरणशास्त्र ह्या उतराचो उगम 'Oecology-eology' ह्या ग्रीक उतरावयल्यान जाला. इकोलोजी [ekoloji'] ग्रीक भाशेंतल्यान 'oikocs' 1869 वर्सा पर्यावरणशास्त्राक संज्ञा दिवपाचें श्रेय अर्नस्ट हॅकल(Ernst Hackel) ह्या जर्मन प्राणीशास्त्रज्ञाक मेळटा. पर्यावरणशास्त्र हो जीवशास्त्राचो फांटो आसून तातूंत जीवावळींच्या एकामेकां कडले संबंदां विशीं म्हायती तशेंच लोकांच्या वातावरणा कडेन जावपी परस्पर संबंदाचोय अभ्यास जाता. पर्यावरणशास्त्राचो अभ्यास करप खूब म्हत्वाचें, कारण पर्यावरणांत जातल्या साद्या बदलाचो सगळ्या जिवांचेर खोलायेन परिणाम जावंक शकता; एके जातीचो नाश जाल्ल्यान हेर जायत्या जातींक मरण येवंक शकता. पर्यावरणशास्त्राची उणी समजूत आशिल्ल्यान आमी आमच्या पर्यावरणाक हानी करपाक चालू दवरूंक शकनात.

विल्यम रुएकर्टसाच्या (William Rueckert) 'Literature and Ecology: An Experiment in Ecocriticism' ह्या निबंदांत पयलेच खेपे 1978 वर्सा 'Ecocriticism' हें उतर आयलें. पर्यावरण समिक्षेची अधिकृतपणान घोशणा 1990 च्या दशकाच्या मध्याक उजवाडाक आयिल्ले अशे दोन सारके ग्रंथ उजवाडाक आयले ते

म्हळ्यार:- शेरील ग्लॉटफेल्टी (Cheryll Glotfelty) आनी हॅरोल्ड फ्रॉम (Harold Fromm) हांणी संपादीत केल्लो 'द इकोक्रिटिसिझम रीडर' आनी लॉरेन्स ब्युएल (Lawrence Buell) हाच्या 'द एनवायरनमेंटल इमेजिनेशन'.

पर्यावरणीय समिक्षा म्हळ्यार साहित्य आनी पर्यावरणशास्त्राचो आंतरविधा नदरेन अभ्यास, जंय साहित्य विद्वान पर्यावरणीय हुस्क्याचें चित्रण करपी ग्रंथांचें विश्लेशण करतात आनी साहित्यांत सैमाच्या विशयाचेर जाल्ल्या प्रस्नाची , चर्चेची तपासणी करतात. व्यापक नदरेन पळयल्यार पर्यावरणीय समिक्षा आमकां आमच्या भोंवतणच्या संवसाराची तपासणी करपाक, सैम नश्ट जावपा फाटल्यान समाजाच्या पद्दतींचेर टिका करपाक मार्गदर्शन करता.

**3) मानसशास्त्रीय समिक्षा**

हे पद्दतीक मनोविश्लेशणात्मक समिक्षा अशेंय म्हण्टात. साहित्यांत आयिल्या लेखकाच्या अनपेक्षीत संदेशाचें विश्लेशण जाता. ह्या विश्लेशणांत लेखकाच्या चरित्रात्मक परिस्थितीचेर भर दिला. लेखकाचे फाटभूंयेर आदारून साहित्यीक मजकुरांतल्या अचेतन घटकांचें विश्लेशण करप हो मुखेल ध्येय. लेखकाचो हेतू तशेंच पात्रांचोय हेतू वाचप्यांक समजून घेवपाक मदत करता. म्हणल्यार लेखक आपूण बरयता तशें कित्याक बरयता, ताच्या चरित्रात्मक परिस्थितीचो ताच्या बरपावळीक कसो परिणाम जाला आनी कथांतले पात्र एके खाशेले पद्दतीन कित्याक वागतात हें समजून घेवपाक ही टिका आमकां आदार

करता. साहित्य आनी साहित्य समिक्षेचेर मानसशास्त्राचो परिणाम दाखोवपी हे मानसशास्त्रीय पद्दतीचेर मुखेलपणान सिग्मंड फ्रॉयड (Sigmund Freud) आनी कार्ल जंग (Carl Jung) हांच्या वावरांतल्यान प्रभाव पडलो. साहित्यांत लेखकाच्यो अचेतन इत्सा आनी चिंतेचें प्रकटीकरण जाता अशें सिग्मंड फ्रॉयडान आपल्या मनोविश्लेशणात्मक सिध्दांत मांडलां. (Berry, Peter. *Beginning Theory- An Introduction to Literary and Cultural Theory*.2018)

## प्रकरण 3: साहित्य आनी पर्यावरण

विसाव्या शेंकड्याच्या शेवटाक साहित्य अभ्यासा भितर पर्यावरण समिक्षा एक वेगळें आनी प्रभावी क्षेत्र म्हूण उदेवाक आयलें. ह्या काळांत पर्यावरणीय प्रस्नांविशीं जागृताय वाडत गेली, पर्यावरणीय तत्वगिन्यानाची उदरगत जाली. साहित्यीकांनी सैमा कडेन संबंदीत प्रस्न साहित्यांत येवपाची गरज वळखून घेतली. आर्विल्ल्या पर्यावरण समिक्षेची निर्मिती पर्यावरणीय चळवळ, साहित्य सिध्दांतांतले बदल आनी साहित्याच्या क्षेत्रांतल्या पर्यावरणीय हुस्क्याक तोंड दिवपाची इत्सा ह्या घटकांच्या संयोगान आकाराक आयली.

1970च्या शेवटाक साहित्यशास्त्रज्ञ विल्यम रुकर्ट (William Rueckert) हाणें 'साहित्य आनी पर्यावरणशास्त्र: पर्यावरण समीक्षेचो प्रयोग' ह्या निबंदांत "पर्यावरणीय समीक्षा" ही संज्ञा वापरपाक सुरू केली. 1978 वर्सा उजवाडाक आयिल्ल्या ह्या निबंदांत रुकर्ट हाणें साहित्याच्या पर्यावरणीय आयामांचो अभ्यास करून साहित्यीक ग्रंथ पर्यावरणा कडेन कशे संवाद सादतात हाचो विचार करपी एक विमर्शीक पद्दत आपणावपाचो उलो मारलो. ह्या निबंदान पर्यावरण समिक्षेच्या अभ्यासाक औपचारीकपण दिवपाचें सुरवातीचें पावल घालें.

सैम मनशा परस चड बळिश्ट आशिल्ल्याचें सदांच सिद्ध जालां. दुकळ , हुंवार, भूंयकांप आदी सैमीक संकश्टां वरवीं मनीसबळाचेर नियंत्रण दवरून पर्यावरणान खूबदां आपली शक्त दाखयल्या.

> "Everything is Connected to everything else" बॅरी कोम्मोनर (Barry Commoner) (Glotfelty, xix)

**जल**

धर्तरेचेर अस्तित्वांत आशिल्ल्या सगळ्या जिवांच्या कार्या खातीर उदक ही मुळावी गरज. उदका बगर जिवीत चलप अशक्य आसा. तातूंतल्यान धर्तरेचो सुमार 70% वांटो तयार जाता. मनशाच्या उपेगा भायर पळयल्यार दर एका जिवाच्या जिवितांत उदकाची मुखेल भुमिका कशी आसा हें आमकां कळटलें. उदक कांय प्राण्यांचें घर. एक ल्हान किड ते दर्याच्या व्हड नुस्त्या मेरेन , दर एका जिवाक जियेवपाक उदकाची गरज आसता. आमच्या वैयक्तीक जिणे विशीं उलयल्यार उदक ही आमच्या अस्तित्वाची बुन्याद, देखून फकत मनशांक न्हय तर वनस्पत आनी जनावरांकय उदकाची गरज कशी आसता तें आमी पळयतात. धर्तरी काम करपा खातीर उदकाचेर आदारून आसता. उद्देगीकरणाचो, जल वेवस्थेर कसलो परिणाम आयला तें कथेनी पळोवंक मेळटा.

**जंगल**

दोंगर, पर्वत , रान हे ग्रहाचें सैमीक समतोल तिगोवन दवरपाक आनी अन्न चक्राचें समतोल दवरपाक म्हत्वाची भुमिका करता. धर्तरेचर सुमार 30% वाठार रानां आस्पावतात. मोनजात, वनस्पत, रानवटी जनावरां आनी वेगवेगळी जिवावळ मेळटात. जंगल हें असंख्य जिवावळीचें अश्रयाचें स्थान आसता. रुख कापप सादारणपणान अर्थीक उदरगत (देखीक- शारीकरण), खणकाम ह्या कांय मुखेल कारणाक लागून जंगलांची स्थिती इबाडल्या.

**जन**

जन म्हणल्यार 'लोक'. आमच्या कृतीचो पर्यावरणाचेर थेट परिणाम जाता आनी आमच्या भोंवतणच्या वातावरणाचो परिणाम सगळ्यांचेर जाता. जिवीत तिगोवन दवरपी सेवा खातीर आमी पुरायपणान सैमाचेर आदारून आसतात जशी – निवळ हवा आनी उदक, स्थिर हवामान, अन्ना खातीर जंगल, रान, पिकावळ. ह्या सैमाच्या सेवांचेर जर वायट परिणाम जालो जाल्यार फकत रानटी जाती न्हय तर आमच्या स्वताच्या जिविताक धोको निर्माण जाता. आमच्या पूर्वजांनी पर्यावरण सांबाळ्ळें. हें आयचो मनीस विसरला. उद्देगीकरणाक लागून खुबशें नश्ट केलां.

**जमीन**

'जमीन' म्हणल्यार धर्तरी वा भूंय. मनशाक भेट म्हणून 'सैमा' कडल्यान सगळें फुकट मेळ्ळां. जमीन म्हळयार सगळया सैमाचो राबितो. जीव जिवावळ आनी अजीव

वस्तुंचो ह्या धर्तरेर आस्पाव जाता. सैमाच्या दर एका घटकाक रावपाक तशेंच नवो जीव उत्पन्न करपाक जमीन आदार दिता. नेटान जावपी उद्देगीकीकरणाक आनी मनशाच्या सुवार्थाक लागून सैमीक संपत्तीचें खर प्रदुशण आनी पर्यावरणाटचें लुकसाण जाता.

**जनावर**

म्हणल्यार प्राणजीव. आमच्या जिवितांत जनावरांक खूब म्हत्व आसता. ते मनशांक अन्न आनी हेर जायत्यो वस्तू अर्पण करतात. मनशाच्या जिवितांत आनी धर्तरेर जनावरांची गरजेची भुमिका आसता. सुरवेच्या काळा सावन मनीस आपल्या फायद्या खातीर जनावरांचो उपेग करता. पयलीं येरादारीच्या हेतून तीं वापरांत आयलीं, फुडें अन्न म्हणून तांकां मारप जालें, शेती वेवसायाक लागून बैलांचो उपेग करप तशेंच जनावरां मनशाक साथीदार म्हणूनय वापरांत येतात. कोंकणी कथांनी गाय, बैल, कुकडां, सुणीं ह्या जनावरांचो संदर्भ आयला.

## 3.2. कथेच्या रचणुकेंत पर्यावरणाची भुमिका

सैम आनी साहित्य हांचो सदांच लागींचो संबंद आसा. ताचो पुरावो संवसारांतल्या चड करून सगळ्या संस्कृतायांनी युगा- युगांतल्यान कवी आनी हेर लेखकांच्या ग्रंथांतल्यान पळोवंक मेळटा. पुर्विल्ल्या मिथकां सावन आर्विल्ल्या साहित्या मेरेन सैमाचो सदांच म्हत्वाचो वांटो आसा. पर्यावरणाक चड करून वातावरण निर्मिती खातीर म्हणून वापरला तशेंच पात्र वा प्रतीक म्हणूनय ताचो उपयोग जाला. पर्यावरणीय

टिका म्हणल्यार फकत सैमा विशीं उलोवप न्हय तर सैमा खातीर उलोवप. म्हणल्यार फकत सैमाविशीं उलोवप आनी तातूंत कितें आसा ताचें वर्णन करप म्हणल्यार पर्यावरणीय टिका न्हय. मनशाच्या वावराक लागून पर्यावरणांत बदल जाता वा सैमीक रितीन मनशाच्या जिविताचेर , पर्यावरणाचेर आनी हेर जिवांच्या जिणेचेर जेन्ना परिणाम जाता आनी ताचो उल्लेख लेखक आपल्या साहित्यांत करता ताका पर्यावरणीय समिक्षा अशें म्हणटात. सैम आनी समाज हांचे मदलो हो लागींचो संबंद लेखकांनी आपल्या ग्रंथांत कसो पाठ्यरूप केला हाचो अभ्यास साहित्याच्या माध्यमांतल्यान समिक्षक करता. हवामान बदल, प्रदुशण, संसाधनांची उणीव, सैमीक पर्यावरण यंत्रणेचो उणाव ह्या सारक्या तात्काळ प्रस्नांक तोंड दिवपा खातीर लेखकांनी हे विशय आपणायल्यात. आपल्या कृतींतल्यान ते अंतर्दृष्टी दितात, विमर्शीक चिंतन करपाक उर्बा दितात आनी वाचप्यांक पर्यावरण सांबाळपाक आपली भुमिका विचारांत घेवपाक प्रोत्साहन दितात.

सैमाची सोबीतकाय आनी शक्त हांचे विशीं साहित्यांत खूब प्रमाणान बरयिल्लें मेळटा पूण पर्यावणाचो हुस्को आनी आमच्या वातावरणाचो सतत गैरवापर मनीसपणाचेर कितलो धोको निर्माण करता हें हालींच्या काळांतच लेखकांच्या लक्षांत आयलां. हीच चिंतेची भावना घेवन साहित्यीकांनी आपल्या साहित्यांत पर्यावरणाचे प्रस्न प्रतिबिंबीत केल्यात आनी हाका लागून साहित्य सिध्दांताचो एक नवो फांटो तयार जावपाक लागलो

तो म्हळ्यार पर्यावर्णीय समिक्षा. ह्या विशयांत हवेचें, उदकाचें प्रदुशण, उद्देगीक कोयर, आनी पर्यावरणाचेर उद्देगीकरणाचो  परिणाम अशे साबार प्रस्न साहित्यांत आस्पावतात. हवामान बदल, उदकाचो उणाव आनी संवसारीक उश्णतायेचे परिणाम सगळें स्पश्टपणान मांडपा खातीर लेखक चड करून साहित्याचो उपेग करतात. तापमान वाडप, झेलाचे टोप वितळप आनी हवामानांतल्या अत्यंत घडणुकांचे संभाव्य परिणाम दाखोवपी कथन ते तयार करतात. हवामान बदल कमी करपाची तात्काळताय विचारांत घेवपाक आनी टिकावू पद्दतीं विशीं चर्चा करपाची प्रेरणा वाचप्यांक ह्यो कथा  दितात.

**जैवविविधताय आनी जातींचें विलोपन**

तशेंच मनशाच्या वावराक लागून सैमांतली जैवविविधताय ना जावप आनी जातींचो नाश जावपाचो धोको साहित्यांतल्यान दिसून येता. पर्यावरण यंत्रणेच्या नाजूक समतोलाचेर, धोक्यांत आशिल्ल्या जातींच्या संवर्धनाचे म्हत्व आनी रानवटी जनावरांचेर मनशाच्या परिणामा भोंवतणी आशिल्ल्या नैतिक दुविधां कडेन लेखक लक्ष ओडटात.

**प्रदुशण आनी सैमाचो नाश**

प्रदुशण आनी पर्यावरणीय विध्वंस हांचे परिणाम सोदून काडपा खातीर लेखक साहित्याचो उपेग करतात ह्या विशयांत हवेचें आनी उदकाचें प्रदुशण, उद्देगीक कोयर, पर्यावरण यंत्रणेचेर गिरायक संस्कृतायेचो परिणाम अशे प्रस्न आस्पावतात.

**अस्मिताय आनी संस्कृतायेंत सैमाची भुमिका**

एका वाठाराची , व्यक्तीची अस्मिताय आनी संस्कृताय घडोवपाक सैमाची मुळावी भुमिका आसता. समाज स्वताक कसो पळयता, आपल्या भोंवतणच्या वाठारा कडेन कसो संबंद दवरतात आनी आपली स्वताची भावना कशीं तयार करता हाचेर पर्यावरणाचो परिणाम जाता. सैम, अस्मिताय आनी संस्कृताय हांचेमदलो गुंतागुंतीचो संबंद विंगड विंगड संस्कृतीक पद्दतींनी, समजुती पद्दतींनी आनी सैमीक जगा कडेन मनीसजातीच्या अंतरंग संबंदाचेर भर दिवपी कला अभिव्यक्तींत दिसून येता.

**देशी संस्कृताय आनी आध्यात्मिक संबंद**

सैम मनशां पयलीं खूब आदीं अस्तित्वांत आशिल्लो आनी तेन्नासावन ताणें मनीसजातीची जतनाय घेतल्या आनी ताका सदांखातीर पोशण दिला. म्हणल्यार आमकां एक संरक्षणात्मक थर दिता जो आमकां सगळ्या तरांच्या नुकसान आनी हानी पासून राखण दिता. सैमाबगर मनीस जगप अशक्य आसा आनी तें मनशान समजून घेवपाची गरज आसा संवसारभरांतल्या देशी संस्कृतायांनी आपली अस्मिताय आनी अध्यात्म चड करून भूंय आनी तिच्या सैमीक खाशेलपणां भोंवतणी केंद्रीत करतात. भूंयप्रदेश प्रेरणाचो स्रोत, पोट भरपाचो पुरवणदार आनी संस्कृतीक गिन्यानाचो भंडार जाता. देशी लोक स्वताक सैमाचो एक अभिन्न भाग म्हणून पळयतात आनी तांच्या संस्कृतीक पद्दतींनी पर्यावरणा सयत सुसंवादात्मक सहअस्तित्व दिसून येता.

**सैमाचो साहित्यांतलो प्रतिकात्मक उपेग**

**उदक**

उदक हें एक बहुमुखी प्रतीक आसून तें जिवीत, शुध्दताय, रुपांतर, बदल अशा वेगवेगळ्या आंगांचें प्रतिनिधित्व करपाक शकता. तो भावनीक स्थितीचो संकेत दिवंक शकता, कारण शांत उदक शांततायेचो संकेत दिवंक शकता, जाल्यार वादळी दर्या अस्थिरतायेचें प्रतिनिधित्व करूंक शकता. देखीकः जयंती नायक हांची 'हुंवार' कथा

**झाडां**

झाडां चड करून वाड, स्थिरताय आनी जिणेच्या चक्राचें प्रतीक. झाडाचे वाडपाचे ऋतू — वसंत ऋतूंत फुलपा सावन शरद ऋतूंत पानां उडोवपा मेरेन — मनशाच्या जल्म, वाड, क्षय आनी नूतनीकरण ह्या अणभवांक समांतर आसतात. देखीकः दामोदर मावज्याची 'भुरगीं म्हगेलीं तीं' कथा

**दोंगर**

दोंगर आव्हानां, आडमेळीं आनी आकांक्षा हांचें प्रतिनिधित्व करूंक शकतात. दोंगर चडप हें अडचणींचेर मात करपाचें वा वैयक्तीक ध्येयां खातीर यत्न करपाचें प्रतीक आसूं येता. देखीकः महाबळैश्वर सैलाची 'एके सावळेचें मर्ण'

**3.3. पर्यावरण आनी मनशाचें नातें**

सैमाक आमी चड करून स्वता पासून वेगळें कितें तरी मानतात, पूण खरें म्हणल्यार आमी सैम. मनीस म्हणून आमी सैमीक जगाचे भाग आसात आनी आमच्या कृतीचो पर्यावरणाचेर व्हड परिणाम जाता.

पयलें म्हणल्यार आमी सैमा पासून वेगळे न्हय, तर ताचो एक भाग हें समजून घेवप म्हत्वाचें. आमी आमच्या जिविता खातीर सैमीक जगाचेर आदारून आसतात. आमी उस्वास घेतात ते हवेंक धरून ते आमी खातात ते अन्ना मेरेन आमी सैमाचेर निंबून आसतात.. आमी सैमा कडेन असंख्य तरांनी जोडिल्लीं आसात आनी आमचें बरेपण पर्यावरणाचे भलायके कडेन जोडिल्लें आसा.

मनीस जातीच्या उदया सावन मनशाचो सैमा कडेन अविभाज्य संबंद आसा. आमचे पूर्वज जियेवपा खातीर सैमाचेर आदारून आशिल्ले अन्नधान्या खातीर शिकार करपाक आनी फळां मुळां एकठांय करपाक, सैमीक संपत्तीचो उपेग करून साधनां आनी आलाशिरो तयार करताले. काळा प्रमाण मनीस समाज जसो जसो जसो विकसीत जालो आनी फुडें वतालो तसो तसो सैमाकडेन आशिल्ले आमचे संबंद बदलत गेले, केन्ना बरे तरेन, केन्ना वायट.

सुरवेच्या मनशांचो सैमा कडेन लागींचो संबंद आशिल्लो. तांकां सैमीक जगाची खोलायेन समजूत आशिल्ली आनी ते जियेवपा खातीर ताचेर आदारून आशिल्ले. शिकार करपाची आनी अन्न एकठांय करपाची तांक, आलाशिरो आनी उशणताय मेळोवपाची तांक

आनी सैमीक संपत्तींतल्यान साधनां तयार करपाची तांक तांच्या जिविता खातीर गरजेची आशिल्ली. तांणी स्वताक सैमीक जगाचो भाग म्हणून पळयलो, ताचे पासून वेगळो न्हय आनी हो संबंद तांच्या कला आनी संस्कृतायेंत दिसून येतालो.जशी जशी मनीस समाजाची उदरगत जायत गेली तशी तशी सैमाकडेन आमचो संबंद बदलूंक लागलो. शेतकी क्रांती मनशाच्या इतिहासांत एक दिका बदलपी मैला फातर थारलो, कारण लोक वनस्पत आनी जनावरां पोसपाक लागले आनी एकाच सुवातेर रावपाक लागले. ताका लागून शारां आनी संस्कृतायांची उदरगत जाली आनी सैमीक जगांतल्यान वेगळेपण वाडत गेलें.उद्देगधंदे आनी तंत्रगिन्यानाचो उदय जाल्ल्यान मनीस सैमा पसून चडांत चड पयस गेल्यात . सैमीक जगाचेर प्रभुत्वाची भावना आमी तयार केल्या, ती आमच्याच हेतू खातीर शोशण करपा सारकी गजाल म्हणून पळयतात. हाका लागून रानां कापप ते प्रदुशण ते हवामान बदल अशे पर्यावरणीय समस्यांचो एक चोमो निर्माण जाला.

आमी आव्हानांक तोंड दितात तरी मनीस आनी सैम हांचे मदीं बरे संबंद येवपाची आस्त अजूनय आसा. हालींच्या वर्सांनी सैमीक जग सांबाळपाचें म्हत्व, आनी ताची राखण करपा खातीर एकठांय येवन वावर करपाची गरज आसा हाची वळख वाडत आसा. तळागाळांतल्या चळवळीं सावन जागतीक उपक्रमां मेरेन संवसारभरांतले लोक एकठांय येवन आमच्या ग्रहाची राखण करतात आनी टिकावू फुडार तयार करतात.

# प्रकरण 4. अभ्यासा खातीर वेंचिल्ले कथाकार

हो सोद वावर करपाक अभ्यासकान पांच कथाकार वेंचल्यात. ते म्हणल्यार

1) पुंडलीक नारायण नायक 2) दामोदर मावजो 3)महाबळेश्वर सैल 4) जयंती नायक आनी 5) प्रकाश पर्येंकार.

हे पांच कथाकार अभ्यासाक वेंचपाचें मुखेल कारण म्हणल्यार ताणीं वेग वेगळ्या साहित्य प्रकारांत हाताळिल्ले असंख्य विशय तांतुंतली विविधताय आनी बरोवपाची शैली

## 4.1. पुंडलीक नारायण नायक

**पुंडलीक नारायण नायक** हो गोंयचो कोंकणी भाशेचो कवी, लघुकथाकार, कादंबरीकार, नाटककार, पटकथा लेखक.

**जल्म**: नायक हांचो जल्म 21 एप्रिल 1952, दिसा गोंयच्या फोंडा तालुक्यांतल्या वळवय गांवांत जालो . ताणें शाळेचो शिक्षक (1972-78) म्हणून आपली कारकीर्द सुरू केली, 1979 वर्सा ऑल इंडिया रेडिओ, पणजे हांगा उपसंपादक म्हणून काम केलें आनी उपरांत थंय पटकथा सहाय्यक संपादक म्हणून काम केलें. 1984 वर्सा ऑल इंडिया रेडिओ सोडून ते पूर्णवेळ लेखक जाले, आनी ताचें फळ म्हूण 32 नाटकां आसात. गोंयांतल्या कोंकणी भाशेच्या आंदोलनांत (1985-87) तांचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्लो . *कोंकणी पोर्जेचो आवाज* (Voice of the Konkani People), त्या वेळार कोंकणी भाशेच्या कार्याक चालना दिवपी प्रचार पंगडाचो तो संयोजक आशिल्लो.

## उजवाडाक आयिल्लीं नाटकां

नायक हाणें रेडिओ आनी दूरचित्रवाणी खातीरय नाटकां बरयल्यात, आनी चित्रपटांचें संपादन केलां. 2011 वर्सा जाल्ल्या पुंडलीक नायकाच्या नाटकांचेर पांच दिसांच्या नाट्य महोत्सवांत, '*शबय शबाय भौजन समाज*', '*कांसलो*', '*सुरिंग*', '*चैतन्याक मठ ना*' आनी '*श्री विचित्राची जात्रा*' अशीं नाटकां माचयेर हाडलीं.

पुंडलीक नायकाचे तीन कथा संग्रह उजवाडाक आयल्यात ते म्हळयार

1. मुठय - 1977 2. पिशांतर - 1977 3. अर्दूक - 1989

गांवगिऱ्या वाठारांतल्या कश्टकऱ्यांनी आनी चिड्डल्ल्या माड्डल्ल्यांची जीण साहित्यांत मांडपाचो येसस्वी यत्न करपी असो हो भौसांतल्या लेखकांचे पिळगेचो मुखेल प्रतिनिधी. पुंडलीक नायक हाच्या साहित्यीक योगदानाचें खाशेलपण म्हळयार ताणें साहित्याच्या विंगड-विंगड प्रकारांच्या मळांचेर लिखणी चलयल्या. कविता, कथा, नवलिका, नवलकाणी, नाटक, एकांकी अशा चड करून सगल्याच ललीत-साहित्य प्रकारांनी ताणें साहित्य-निर्मिती केल्या. ताच्या कथा आनी नवलकाणी-नवलिकांनी तशेंच नाटकांनी समाजांतल्या दुबळया वर्गांचम दुख्खां, व्यथा आनी हावेस, तांचेर जावपी अन्याय, अत्याचार आनी तांचे जिणेंतले बदल हांचें चित्रण जाल्लें आसा.

## 4.2. दामोदर मावजो

**दामोदर मावजो** हे कोंकणींतले एक नामनेचे कथाकार आनी कादंबरीकार.

**जल्म आनी शिक्षण**: दामोदर मावजो हांचो जल्म 1 ऑगस्ट 1944 दिसा जालो. तांचें भुरगेपण साश्टिच्या माजोड्डें गांवांत गेलें. तांचें मुळावें शिक्षण मराठी , पुर्तुगेज आनी इंग्लीश भाशेंतल्यान गोंयातूच जालें. उपरांत मुंबयच्या पोद्यार कॉलेजींतल्यान ताणें वाणिज्य शाखेची पदवी घेतली. मुंबय आसतना आंतर महाविद्यालयीन नाटक सर्तींत नाटकां बरोवन तशेंच तातूंत वांटो घेवन आपले साहित्यिक जीणेक सुरवात केली.

कोंकणी साहित्याक उंचेल्या पांवड्यार व्हरपाक दामोदर मावज्याचें योगदान खूब व्हड आनी मोलोदीक योगदान आसा. हें काम निस्वार्थीपणान केल्ले दिसता. भलायकेचो हुस्को आसतना लेगीत ताणें साहित्य रचना केल्ली पळोवंक मेळटा. फाटली 40 वर्सा वयर दामोदर मावजो हाणी साहित्याची सेवा केल्ली दिसता. आपल्या साहित्यांत ताणी अंधश्रध्दा पयस दवरून लोकांक सुदारपाचें जागृताय करपाचें काम ताणी साहित्यांतल्यांत केल्लें आसा. साहित्या वांगडाच कोंकणी चळवळींतय ताचें व्हड योगदान आसा.

गोंय मुक्ती उपरांत गोंयच्या कोंकणी साहित्याच्या मळार एक तेजीश्ठ अशी कथाकारांची पिळगी मुखार आयली. तातूंत मावजो आशिल्लो. ताणें कोंकणी कथेक एक आगळो रूपकार दिलो. साश्टी वाठारांतल्या किरिस्तांवांच्या जिविता वयल्यो प्रादेशीक कथा ताणें बरयल्यो. तांच्या कथांक प्रादेशीक स्पर्श आनी कस आसलो तरीय

कथा बिज मात संवसारीक आसात. समाज जिणेंतल्यो व्यथा आनी विसंगती , नाडपणां आनी भावार्थीपण हे चडशे तांच्या कथांचे विशय आसात.

ताच्यो कथा तर्कशुध्द, तंत्रशुध्द, आनी वास्तववादी आसतात.

**कथा झेले**

1. 1971- गांथन (पयलो कथासंग्रह) पुस्तका खातीर 1973 वर्साक कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार

2. 1975 – जागरणां, 1976 वर्सा जागरणां कथासंग्रहाक कोंकणी भाशा मंडळाचो साहित्य पुरस्कार.

3. 1981 – रुमडफूल

4. 2001 – भुरगीं म्हगेली तीं, 2003 वर्सा भुरगीं म्हगेली तीं ह्या पुस्तका खातीर जनगंगा पुरस्कार. 'These are my Children' नावांन इंग्लीश भाशेंतल्यान कथा प्रकाशनान (नवी दिल्ली) अणकारुन उजवाडाक हाडला.

5. 2014- सपनमोगी

6. 2020-तिश्टावणी

## 4.3. महाबळेश्वर सैल

**जल्म आनी शिक्षण**: महाबळेश्वर सैल हे नामनेचो कादंबरीकार. महाबळेश्वर दत्ता सैल हांचो जल्म 14 एप्रील 1943 जालो. ताचें जल्मस्थळ माजाळी. माजाळी हो गोंयचे

दक्षीणेक आशिल्लो कारवार तालुक्यांतलो सामको शिमे वयलो गांव. करमल घाटा पेले कडल्या दक्षीण गोंयांतल्या तमाम कुटुंबां लागी लागशिल्लो. सैलाचे शिकप एस.एस.सी मेरेन जाला. घरचे प्रतिकूल परिस्थितीक लागून तो फुडें शिकूंक पावले नात 17 वरसांचे पिरायेर तो भारतीय फौजेंत भरती जालो. फौजेंतली ताची म्हत्वाची कामगिरीः नोव्हेंबर 1963 ते नोव्हेंबर 1964 ह्या तेरा म्हयन्यांच्या काळांत ते संयुक्त राष्ट्र संधाचे वतीन इस्त्रायल इजिप्त हांचे मदल्या तंट्यांत शांतीसेनीक म्हण पॅलेस्टानांत वावुरले तशेंच 1965 च्या भारत पाकिस्तान हांचे मदीं जाल्ल्या झुजांत वांटो घेतलो. ही फौजेची जीण सोंपले उपरांत तांणी गोंय हीच आपली कर्मभूंय मानली आनी तेन्नाच्यान ते गोंयांतच स्थायीक जाल्ले आसात. पोस्टमास्तर म्हण सरकारी सेवेंत ताणें काम केल्लें आसा. सैल कोंकणी कथेच्या मळार अचकीत आयले आनी आपणाल्या परजळीत कथा लेखनान तांणी एक आगळीच नामना साध्य केल्ली आसा. आपणाले अणभवविश्व उतरांच्या माध्यमांतल्यान जितें जिवें उबें करपाची तांक आशिल्लो हो एक खांपो कलाकार. खंयचेय गजालिची सुक्षीमतायेन पारखणी करपाचें तांचें कसब, तांचे कथेक तट्टसाण हाडीत आसता. एका समर्थ चित्रकारान काडिल्ल्या चित्रावरी एकाद्रे व्यक्तिचें शब्दचित्र खिणाभरयान दोळयां सामकार आसा तशें वर्णन करता.

**साहित्यीक वावर**: ल्हानपणा सावन खूब संघर्शांतल्यान जीण सारिल्ल्यान ताच्या कथेंत दुख आनी गरीब मनशाची व्यथा दिसता. शेतकारांचे प्रस्न, ग्रामीण जीण , सैम आनी

कथेंतल्यान कारवार वाठाराचें चित्रण सोबीतपणान हाडपाचो यत्न केला. ‘निमणो अश्वत्थामा’ ह्या कथा झेल्यांत सैमाचें चित्रण ताणें भेस बरें केलां. सैलान बरयल्ल्या दर एका कथेंत सैम वातावरण निर्मिती जावन म्हत्वाची भुमिका करता. सैलाची आनी एक खाशेलताय म्हणल्यार बायल मनशेची भावनां भेस बरे रितीन मांडपाची तांक ताच्या कथेनी दिसून येता. ताच्या कथा संग्रहांत मनशांची जिणें-पानां उक्ती करपी कथा अदीक करून आसात. सैलांचे अप्रूप शैलीन पितारिल्ल्यो घटना सामान्य मनशाचे जिणेंत आस्पावल्ल्यो आसात. ताणें चितारिल्लीं मनशां हुनहुनीत रगतामासाचीं दिसलीं ना जाल्यारच अजाप करपाचें. तशेंच ताचें भाशेर आशिल्लें प्रभुत्व वाचकांक गुंथून दवरता.

**कथा संग्रहः**

1) पलतडचें तारू- 1989

2) तरंगा 1991 उजवाडाक आयलो. 1993 वर्साक ‘तरंगा’ कथा संग्रहाक साहित्य अकादमी पुरस्कार फावो जाला.

3) बायनेट फायटींग 2005     4) निमणो अश्वत्थामा 2009     5) दोन मुळाचें झाड 2011

**4.4. जयंती नायक**

**जल्म**: जयंती नायक, तिचो जल्म 6 ऑगस्ट 1962 वर्सा गोंयच्या केपें तालुक्यांतल्या आमोण्या गांवची, ती एक कोंकणी लेखिका आनी गोंयच्या लोकवेदाची संशोदक जावन आसा. ती एक कथाकार, नाटककार, बालसाहित्य बरोवपी, लोकवेद अभ्यासक , अणकारपी आनी गोंय विद्यापिठाच्या कोंकणी विभागांतल्यान ऊंच पदवी मेळोवपी ती पयली व्यक्ती जावन आसा. तिच्या तीन दसकांच्या कार्किर्दींत, तिणें दर वर्सा सरासरी एक पुस्तक उज्वाडायलां. नायक हिणें लोकवेदाचेर 16 पुस्तकां बरयल्यांत.

नायकाचें 'आमोणें एक लोकजीण' (गोवा कोंकणी अकादेमी, 1993) आमोण्याच्या गांवचेर आनी तिच्या भोंवतणच्या जाग्यांचेर केंद्रीत आसा.तातूंत इतिहास, धर्म, समाजीक दस्तूर, **उजवाडाक आयिल्ले कथा संग्रह**

1) गर्जन -1989 2) अथंग - 2002 3)आर्त – 2019 4) तिची काणी

बायलांचेर जावपी अन्याय, अत्याचार पळोवन वा सरभोंवतणचो विध्वंसक समाज पळोवन ह्या समाजाआड आवाज उठोवंकूच जाय ह्या हावेसान जयंतीन कथा हें माध्यम आपणायिल्ले. ते बगर ताका दुसरो पर्याय नाशिल्लो. ताचो खासा बायलांचे साहित्यीक, संघटनात्मक आनी कोंकणीचे भाशीक चळवळीकडेन लागींचो संबंद आशिल्लो. आदर्श आनी आव्हानां पेलपाच्या हावेसान आपल्यांतले सर्जनशीलतायेक वाट करून दितना जल्माक आयलो तो गर्जन' कथाझेलो. गर्जनांतली कथा तशी पयल्या चंवरांतली. होच चंवर नांवा रूपाक येवन आयज आमचे मुखार दिश्टी पडटा तो 'अथांग' हो झेलो . 'बायल'

हो ह्या कथा झेल्यांतलो मुखेल आनी प्रभाव घालपी असो विशय आसा. कथाकार म्हणून जयंतीचो विचार करतना तें लोकवेदाचें अभ्यासकूय आसा हें मतींत घेवन तांच्या कथा विशीं विचार करचो पडटा. 'लोकश्रध्दा' हो ताच्या चडश्या कथांचो स्थायीभाव आसा. निराकाराक आकार दिवन अथांगाचो थाव घेवपी कथा ह्या झेल्यांत आस्पावल्यात. देव-देवस्की, खुंटी-मठी, भावार्थ, समज, अपसमज हांचे वांगडा जबर हावेस बाळगुपी आधुनीक युगांतली बायल, एकसुरे एकमुळे जिवित जगपी बायल, लोकतत्व सांबाळून दवरपाखातीर वावुरपी कश्टी - गाबीत समाजाचें चित्रण, हो कथाझेलो आमकां करून दिता.

## 4.5. डॉ. प्रकाश पर्येंकार

**जल्म आनी शिक्षण**: प्रकाश पर्येंकार हांचो जल्म धावें- तार, सत्तरी गोंय 30 जुलय 1968 ह्या दिसा हांगा शेतकार कुटुंबात जालो. तांचे भुरगेपण खेळिमेळीन आनी कश्टांनी गेलें. गोरवां राखप, शेतांत काम करप, काजू बागायतींत भोंवून काजी कुडावप सारकीं कश्टाचीं कामां भुरगेपणांत करचीं पडल्यांत. तेच भशेन न्हंयचेर वचून उदक हाडप, आयदनां घांसप, मिरसांग वाटप, भात कांडप, रांदप सारकीं घरकामां भुरगेपणांत करचीं पडल्यांत. म्हादय न्हंयचेर न्हावप, पावसाळयांत गरोवणेक वचप, गिमाळयांत रातची दिपकावणी करप सारक्या अस्सल ग्रामीण अणभवांनी तांची जीण समृध्द जाल्या. भुरगेपणांतले हे तांचे

अणभव तांच्या दवरणें (2005) ह्या तांच्या ललीत निबंदांच्या पुस्तकांत वाचपाक मेळटात. ह्या तांच्या पुस्तकाक साबार पुरस्कार फाव जाल्यात.

तांचे शिक्षण एम. ए. (कोंकणी), एम. कॉम (मॅनेजमेंट), बी. एड. (कोंकणी), पीएच डी (कोंकणी) मेरेन जालां. तांचे मुळावें शिक्षण सुरवातीक तांच्या घारांत जालें. मुखार प्राथमीक विद्यालय, कुडशें सत्तरी हांगां यत्ता चवथी मेरेन मराठींतल्यान जालें. यत्ता पांचवी मेरेनचें शिकप अवर लेडी ऑफ लुर्डस हायस्कूल, वाळपय हांगा जालें. काजू बागायतींचें रेन करपाक आयिल्ले कडेन मंगलदास नायक ,गुडीवाडा नेवरा हे व्यक्तीकडेन वळख जाली. शिकपाची तिव्र इत्सा आशिल्ल्यान मंगलदास तांणी ताका आपल्या घरा व्हेलो. आझमाने हायस्कूल, नेवरा तिसवाडी हांगा यत्ता सवे खातीर प्रवेश घेवन दिलो. उच्च माध्यमीक शिक्षण (बारावी -कॉमर्स). फा. आग्नेल हायरसेंकडरी पिलार हांगां जालें. मुखार ते आपल्या मूळ घरा आयले आनी साखळी महाविद्यालयांत प्रवेश घेतलो. थंय तांचें शिक्षण बी.कॉम. मेरेन जालें.

**साहित्यीक वावर:**

2002 वर्सा केल्ली म्हादय परिक्रमा आनी ताचे उपरांत घाट माथ्यार केल्ल्यो साबार भोंवड्यांक लागून 'म्हादयः काळजांतल्यान कागदार...' (2011) सारकें महत्वाचें पुस्तक ते बरोंवक पावले. सैमातल्या विवीध खाशेलपणांचें तांच्यानी लागींच्यान निरिक्षण केल्ल्यान 'इगडी बिगडी तिगडी था' (2006) सारकें पर्यावरणाचो संदेश दिवपी बालनाट्य

तांच्या हातांतल्यान बरोवन जालां. 1994 वर्सा सुरू केल्लो उजवाड उत्सव आयज तो संकल्प दीस म्हण मोठ्या उत्साहान वर्सान वर्स 31 डिसेंबर हे राती मनयतात. हे कार्यावळीक 2021 वर्सा 29 वर्सां भरतात. तांचो 'आमचे आमी' हो कवीता संग्रह 2013 वर्सा प्रकाशीत जाला.

कोंकणी साहित्याच्या मळार प्रकाश पर्येंकाराची वळख एक कथाकार म्हण आसा. आयजवेर तांच्यानी साबार कथा बरोवन उजवाडा हाडल्यात. तांच्या 'चंद्रकोर', 'मोनेळ माया', 'गळ्यांतलो खुरीस' ह्या कथांचेर फिल्मां तयार जाल्यांत. तांचे 'काजरो' हे कथेचेर काजरो ह्या नांवान अनकट कोंकणी फिल्म तायार जावन तेका 67वो राष्ट्रीय फिल्म पुरस्कार फाव जाला. कथेंत ग्रामीण जीवन आनी सैमाचीं विवीध आंगा मुखेलपणान येतात. तांचे 'चंद्रकोर' हे कथेक नवी दिल्लीचे कथा हे संस्थेचो 2003 वर्साचो राष्ट्रीय कथा पुरस्कार फाव जाला. तांच्यो कांय कथा कोंकणी कथा मराठीत ह्या केंद्रीय साहित्य अकादेमीन उजवाडा हाडिल्ल्या प्रतिनिधीक कथा संग्रहात म्हाबळी कथेचो आस्पाव जाला. इन्स्टिट्यूट मिनेझीस ब्रागांझा, पणजी हे संस्थेन उजवाडा हाडिल्ल्या 'कथावली' आनी 'गोवापुरी' ह्या प्रातिनिधीक कथा संग्रहात 'वर्सल', 'आनी ते पोट घेवन गेले...' ह्या कथांचो आस्पाव जाला.

**प्रकाशीत जाल्लें साहित्य:**

1) दवरणें -2005 2) इगडी बिगडी तिगडी था -2006 3)कोल्याचीं नाडेपेन्नां -2010

4) म्हादय : काळजांतल्यान कागदार...-2011 5) आमचे आमी -2013

6) वर्सल - 2021 7) पुरण -2022

# प्रकरण 5.अभ्यासाक नियाळिल्ल्या कथेंची पर्यावरणीय मोलावणी

पांच ज'आंच्या नदरेन अभ्यास करतना लेखक आनी तांच्या कथा संग्रहांचो तकटो हावें तयार केला. ज्यो कथा पुरायपणी जन, जंगल, जल, जनावर आनी जमीन ह्या घटकांक केंद्रीत करतात तांचे वर्गीकरण केलां. तशेंच कांय कथांक उण्या प्रमाणान हे घटक आस्पावतात तांकां आशय आनी विशयाच्या नदरेंतल्यान वर्गीकरणाचे सदरांत घातल्यात.

***'मरण येना म्हण'** ही दामोदर मावज्याची एक उत्कृश्ट कथा. कोंकणींतली चाकोरी भायली अशी ही कथा. ही कथा मावजो हांच्या खंयच्याच कथा झेल्यांत येवंक ना. पयलेच फावट ही कथा गुरुनाथ केळेकार हांच्या 'नवें गोंय' ह्या नेमाळ्यांत आयिल्ली. मागीर तिचो आसपाव स. अना म्हांबरो हाणी संपादीत केल्ल्या आनी 'जागा'न उजवाडायिल्ल्या 'प्रसादाफूल' ह्या प्रातिनीधीक कथा झेल्यांत केलो. सैम साधन संपत्तीच्या उणावाक लागून पर्यावरणाचेर आनी जनावरांचेर कसो परिणाम जावं येता तें ही काणी दाखयता.

## तकटो 5.1: पांच 'ज' प्रमाण वेंचीक कथांचें वर्गीकरण

| जन | जंगल | जनावर | जल | जमीन |
|---|---|---|---|---|
| 1) सैमपुरूश- महाबळैश्वर सैल | 1) एके सावळेचें मर्ण- महाबळैश्वर सैल | 1) नागसर्प- महाबळैश्वर सैल | 1) उदक- प्रकाश पर्येकार | 1) भूंयसुवात- महाबळैश्वर सैल |
| 2) मिंगेलीलीं घरचीं- दामोदर मावजो | 2)महाबळी- प्रकाश पर्येकार | 2) मनश्यांच्या गावांत- दामोदर मावजो | 2) हुंवार- जयंती नायक | 2) निमणो अश्वत्थामा- महाबळैश्वर सैल |
| 3) कवाथो- जयंती नायक | 3)अभयारण्य- प्रकाश पर्येकार | 3) खाटकागेर एक रात- पुंडलीक नायक | 3) मनीसबुडी- महाबळैश्वर सैल | 3) आनीक एक हिमयूग- महाबळैश्वर सैल |
| 4) भुरगीं म्हगेलीं तीं- दामोदर मावजो | | 4) बसवो- जयंती नायक | 4) जीण अशीच सोंपचेली- | 4) पेट्टी सावळी- महाबळैश्वर सैल |
| 5) आनी ते पोट घेवन गेले- प्रकाश पर्येकार | | 5) घोंटेर- प्रकाश पर्येकार | 5)मरण येना म्हण- दामोदर मावजो (जाग 2022) | |
| 6) चंद्रकोर- प्रकाश पर्येकार | | | | |

# तकटो 5.2: वेंचीक कथाकार आनी तांचे कथासंग्रह

| लेखक | कथासंग्रह | कथा |
|---|---|---|
| 1) पुंडलीक नायक | 1) अर्दूक | 1) खाटकागेर एक रात |
| | | |
| 2) दामोदर मावजो | 1) भुरगीं म्हगेलीं तीं | 1) मिंगेलीलीं घरचीं<br>2) भुरगीं म्हगेलीं तीं |
| | 2) सपनमोगी | 1) मनश्यांच्या गावांत |
| | 3) गांथन | 1) जीण अशीच सोंपचेली |
| 3) महाबळेश्वर सैल | 1) निमणो अश्वत्थामा | 1) निमणो अश्वत्थामा<br>2) मनीसबुडी<br>3) भूंयसुवात<br>4) सैमपुरूश<br>5) एके सावळेचें मर्ण<br>6) आनीक एक हिमयूग |
| | 2) बायनेट फायटींग | 1) पेट्टी सावळी |
| | 3)दोन मुळाचें झाड | 1) नागसर्प |
| 4) जयंती नायक | 1) गर्जन | 1) हुंवार |
| | 2) अथांग | 1) बसवो |
| | 3) आर्त | 1) कवाथो |
| 5) प्रकाश पर्येकार | 1) वर्सल | 1) उदक<br>2) आनी ते पोट घेवन गेले<br>3) घोंटेर<br>4) चंद्रकोर |

## 5.1 पांच ज'आंच्या नदरेंतल्यान

सैमाची सोबीतकाय, ताजगी आनी शांतताय, जाचो मनशाचेर हितसंबंदीत प्रभाव पडला. तेच बरोबर मनशाक नम्र करपी आनी ताका विश्वांत आपली सुवात दाखोवपी सैमाच्या उदात्त आनी भयानक मनोवृत्तींचेंय कथन केलां. पर्यावरणीय समिक्षेंत फकत पर्यावरणाचोच अभ्यास न्हय तर तिच्या परिस्थिकीचोय अभ्यास जाता. समाज, संस्कृताय, परंपरा, मानसशास्त्र, राजनिती, रिती रिवाज , साहित्य अशा साबार गजालींचो अभ्यास जाता. पुंडलीक नायक, दामोदर मावजो,महाबळैश्वर सैल, जयंती नायक आनी प्रकाश पर्येंकार अशा पांच वेंचीक कथाकारांच्यो कथा निवडल्ल्यो आसात. कोंकणी कथेंच्या पांच ज'आंचो अभ्यास करतना हे पांचूय घटकांच्या प्रमाणे कथेचें वर्गीकरण जाल्लें आसा. कोंकणी कथेंत मुखेतलतायेन कितल्या प्रमाणान पर्यावरणाचो हुस्को परगटायला हाचो वर्णनात्मक पद्दतीन अभ्यास केला.

### 5.1.1. जल

**'मरण येना म्हण'- दामोदर मावजो (जाग)**

हे कथेंत हवामानांतल्या बदलाचो परिणाम आनी ताचो पर्यावरणाचेर जावपी बदल आमकां पळोवंक मेळटा. जून म्हयनो सोंपत आयला तरीय धर्तीरर पावस ना ह्या कारणाक लागून वेगवेगळया प्रकाराचीं झाडां आनी भुंयेची पडींग

जाल्ली दशा ह्या कथेंत चित्रायल्या. बांय सुकल्यो, तळीं आटलीं इतलेंच न्हय तर रेबो सुकून ताचो फातर जाल्लो. हें सगळें घडटना एका हेवाळयाची दशा लेखकान चित्रीत केल्या. मरण येना म्हण आपल्या पिलांक घेवन तें उदक आशिल्ल्या जाग्यार वचपाचो प्रयत्न करता हो ताचो प्रवास आनी तातूंत हेवाळयाक आनी ताच्या पिलांच्या वांट्याक आयिल्लो संघर्श आमकां ह्या कथेंत दिसून येता. तशेंच बिब्याच्या झाडाचो उल्लेख जाला , हेवाळया सारकें ताकाय मरण जायशें जालां कारण धर्तरेर उदक ना आनी तें एकसुरें पडलां. उदकाच्या सोदान हेवाळें वतान तापिल्ल्या हुनहुनीत भुंयेर आपलें आंग झरोवन वता आनी निमाणेकडेन तळयाशीं पावता. हेवाळयाचें खीण भर सुख आनी उपरांत मनशांनी येवन त्या तळयाचेंय उदक सोंपवपाचें दुख ताच्यान सोंसूंक जायना. निमाणे कडेन तळयांत आशिल्या हेवाळयाचेर नदर पडटकच ताचेर दांडो मारून जीव घेवप ह्या कथेचें अंत. मनशाची जनवारां विशीं संवेदनशीलता शेणत गेल्या हें लेखकन बरे तरेन मांडलां.

> "भुरग्यांचो उगडास येता- बरें जालें, पयलीं गेलीं तीं! आनी तो बिबो आजुनूय तो मरणाची वाट पळयत आसतलो! मरण येना म्हण...
> "शाब्बास, धपक्याक उडयलें मरे!"(मावजो, 27)

मनशा वांगडाच उदकाच्या उणावाक लागून वनस्पत आनी जनावरां ताचो परिणाम भोगतात. रान मरपाक लागता तेन्ना रानांत रावपी रानवटी जनावरां

आपली रावपाची सुवात सोडून वतात. अन्न आनी उदकाच्या सोदांत हेर वेगवेगळ्या सुवातींनी स्थलांतर जातात. स्थलांतर करतना ते मनशाच्या रावपाच्या सुवातेर पावतात आनी कथेंत हेवाळ्याक मरण आयलां त्याच तरेन ह्या जनावरांकय मरण येता. उदकाच्या स्रोतांची काळजी घेतली नाजाल्यार मनशा मुखार, वनस्पत आनी  जनावरां मुखार फुडाराक कितें वाडून दवरलां हाचें चित्र बरोवपी ह्या कथेंतल्यान मांडटा.

**'हुंवार'-जयंती नायक (गर्जन)**

हे कथेंत हुंवाराक लागून गांवचो नाश जाल्लो पळोवंक मेळटा. मनीस जेन्ना सैमाचे नियम पाळिना तेन्ना सैम समतोल दवरपा खातीर सगळें नियंत्रणार हाडपाक आपले परीन वावर करता.

पावस तर थांबपाचे नावूच काडनाशिल्लो . तीन दस जाल्ले , तो एकसारखो घोग्यांनी बडवतालो . मळबांत काळी काळी कुपां इतकी दाटिल्ली की , रात काय दीस हे समजूवप कठीण जाल्लें . वारो तर सामको खंकाळ जाल्लो . झाडाच्यो खांदयो कडाकड मोडटाल्यो . व्हडले व्हडले रूख मुळांसकट हुमटताले . सगळ्या वाटाराक उदकच उदक जाल्लें"(नायक, 19)

पावस तीन दीस जडत आशिल्ल्यान लोकांच्या मातयेचीं घरां गळून गेल्लीं आनी तांतूंतल्यान गांवच्या लोकांचेर आकांत पातळिल्लो. गांवच्या बर्या

वायटाची जबाबदारी सुकडो नावाच्या पात्राचेर आदारिल्ली आसता. ह्या कथेंत लोकांची गांवचे विशी श्रध्दा आमकां दिसून येता.

इतल्यान 'देवाचें मुखें' ना म्हणपाचें ताचे मतींत येता आनीक पावस देवाचो कोप म्हूणन समजता. भगत देवळांत काम करतालो. ताणें देवाचें भांगराचें मुखें चोरलां म्हणून गांवकारांनी ताचेर आरोप घातलो. भगताचो जीव वचत मेरेन ताका लोकांनी मारलो पूण शेवटाक होलमल्लें एका पिशान तें चोरून व्हेल्लें. हुंवार हे कथेंत गांवच्या लोकांचें लोकमानस आमकां लेखिका दाखोवन दिता. सत्याक फाट करून हुंवार देवाचें मुखें चोरलां म्हण आयला हें समजून नकळटां गांवकार आपल्याच हातानी भगताक मारून पाप ओडून घेतात. कथांत जो हुंवार आयला तो सैमीक संकश्टाक लागून जाला. हुंवाराक लागून गांवच्या लोकांचेर जाल्लो परिणाम लेखक आमच्या सामकार हाडटा. सैमीक संकश्टाचो परिणाम 'जन' आचेर जाता. तशेंच देवाक मानपी लोक जाल्ल्यान गांवच्या लोकांच्या विचार करपाचे क्षमतेक कसो परिणाम जाला हें आमकां दिसता. सैमीक संकश्ट येता तेन्ना ताचो फकत पर्यावरण आनी लोकांच्या जिवनाचेर परिणाम जायना तर मनशाचेर मानसीकतायेर परिणाम जाता.

**'उदक' – प्रकाश परेयेंकार (वर्सल)**

केन्ना-केन्ना आमी म्हत्वाच्यो आनी मोलादीक आशिल्ल्यो गजाली गमयले बगर वा त्यो धोक्यांत पडचे मेरेन तिचें मोल कळना. उदक ना जाल्यार वनस्पत, जनावरां आनी मनीस जिवीत उरना. आमचें जिवीत पुरायपणान उदकाचेर आदारून आसा. उदक- पयलींच्या काळार न्हंय, तळीं, वझरे, बांयो उदकाचें मूळ स्रोत जावन आसले. कथेंतल्या कापशें गांवांत उदकाचो मूळ स्रोत थंयच्या लोकांनी खणिल्ली बांय आशिल्ली. बांयचे उदक घरगुती कामाक तशेंच मोनजातींक पियेवपाक वापरतालीं गांवांत जशीं घरां ( लोक संख्या) वाडत गेलीं तशें उदक कमी पडपाक लागलें. उदरगतीक लागून बांय पुरून त्या जाग्यार रस्तो बांदलो. तशेंच नळान बांय, न्हंय हांचो जागो घेतलो. गांवचो लोक नळांतलें उदक वापरूंक लागलो. ह्या नळाची पायप लायन फुटून खूब दिस गेल्ले. उदक नाशिल्ल्यान गांवचे लोक भौशीक नळ वापरताले. रांदपाक, न्हावपाक, कपडे उमळपाक, पोरसूं शिंपपाक आनी गोरवांक पियेवपाक उदक नाशिल्ल्यान हे कथेंत गांवच्या लोकांची तशेंच हेर जिवांची तळमळ दिसता. दर वर्सा लोकांची हीच गत जाल्ल्यान लोक निर्शेतात आनी पायप लायनीच्या इंजीन्यरा कडेन कागाळ करतात. लोकांक दोन दिसांनी नळाक उदक येतलें म्हण लोकांक आश्वासन दिवन तो घरा धाडटा. दोनाचे पांच दिस जावन गेले पूण उदक ना. उदकाक लागून लोकांचो हाल जाल्लो ह्या कथेंत दिसून येता. उदक येवचें ना म्हण गोकूळ स्वता

खोरें पिकास घेवन बांय पुरिल्ले सुवातेर परतून खणपाचो प्रयत्न करता तें दिसता. उदक ही दर एका मनशाची मुळावी गरज, पूण उदकाचो उणाव हो एक मुखेल प्रस्न आसून तो सद्या भारतांत खूब नेटान वाडत आसा. ही समस्या इतली खर जाल्या की जायत्या राज्यांनी भूंयगत उदक जवळजवळ सुकलां आनी लोकांक हेर स्रोतांतल्यान उदका पुरवणाचेर आदारून रावचें पडटा. ते भायर उदकाचो ही एक चड गैरवापर जायत आसा.

पयलीं लोकांक उदकाचें मोल समजून ताचे भोंवतणी आपले जिणेची येवजण आंखताले. तांणी बांयो बांदल्यो आनी मुळाव्या गरजेखातीर उदक सांठोवन दवरलें. गोकुलाक आतां पुरून रस्तो म्हणून वापरिल्ली त्याच सुवातेर बांय खणून आपल्या मुळां कडेन परत येवपाची इत्सा आसा हें ह्या काणयेंत आमकां दिसता एके रितीन ह्या घडणुकेंतल्यान मनशाक पर्यावरणाक आशिल्लें म्हत्व आनी ताचे मजगती आशिल्लो दुवो वळखूंक मेळटा.

**'मनीसबुडी'- महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

मीठाचो धंदो करपी समाज हे कथेंत चित्रायला. गावांत बुड्डटी येतकच आख्खो वाठार मातये भरवण जाता. मिठाच्यो खणी इबाडटात. सगळे नश्ट जाले उपरांत वाड्यांत मेजकींच घरां उरतात. सगळीं मडीं वाड्यांत उदकाचेर पातळ्ळीं. मड्यांक विलो लायिल्लो जाल्यार कांय मडी उदकांत व्हांवून गेल्लीं.

अशा वेळार घरांत कोणाचो बुडूडटेक लागून व्हांवून गेला तांकां एक लाख मेळपाची सुविधा गांवचो मंत्री दिता. ह्या कथेंत लेखकान गांवांत मंत्री आसा अशें बरयिल्लें आसा.

''तेणें आपली मांडणी पयलीं बायलेक सांगली. 'एक दादल्या मडें मेळ्ळां. एका लाखाचो म्हालवज हाडून दारांत उडोवन दाखलो घेवं येता. पूण कोण तरी मेला म्हण दाखोवंक जाय. तूं अस्तरी. हांव म्हण सांगल्यार मागीर सारकें जावचें ना. पयशे मेळसर बापायक लिपोवन दवरंया. तेचेंच मडें म्हणुंया. रावतलो तो भितर ओगी पडून. बाज्जे पोंदाक सामाना आड. रातचो भायर काडचो..'(सैल, 30)

असल्या वातावरणांत पयशांच्या आशेक लागून मनीस कोणाचींय मेल्लीं मडीं आपल्या घरचीं म्हूण सांगून पयशे घेतात. मनशाचें आंतरीक मन , मनशाचो सुवार्थ, हपापिल्ली वृत्ती ह्या कथेंतल्यान लेखक वाचप्यां मुखार स्पश्ट करता आनी समाजाची वास्तवताय दाखयता.

**'जीण अशीच सोंपचेली'- दामोदर मावजो (गांथन)**

हे कथेंत लेखकान सैमाक पात्र केलां. मांडोवी न्हंय, कुपां, दोंगर, पणजी शार, गोंय, पावस आदी. कथा फुडारांत येवपी सैमीक संकटांचेर भाश्य करता. पावस कसो तयार जाता हाचेर कुपांचें भाश्य ह्या कथेंत केलां. सैमाचे हेर घटक

जशीं झाडां, दोंगर, न्हंयो पावसाक जापसालदार आसात. दुकळ पडिल्ल्या कारणान कथेंत दांगराचो संवाद कुपा कडेन जाता,

"धव्या कुपा, तूं जाणा, दुकळ पडला म्हुण उदकाक सगले हापापल्यात. म्हज्या आंगार खेळपी वाग , शीव , मेरू , दुकर , सोशे , सुकणी उदक नासून म्हाका सोडून वतात . ही झाडां - झोपां उदक नासून करपतात हे पळोवन म्हाका सूख कशे लागतले ?"( मावजो, 25)

जर तांचो विदव्वंश जालो जाल्यार आमकां कितलो घातकी आसा हें कुपांच्या संवादांल्यान लेखकान उक्तायलां. हे कथेंत संघर्श आयला तो सैमीक आनी कृत्रीम कुपांचो. कृत्रीम कुपां मुखार सैमीक कुपांनी आपल्या अस्तित्वा खातीर केल्लो संघर्श हांगा दिसता. विज्ञानाचो आदार घेवन फुडाराचो विचार हे कथेंत केल्लो दिसता. ' कृत्रीम कुपांची' (Cloud Seeding) ही संकल्पना पयलीं न्यू योर्क ह्या देशांत विसाव्या शेंकड्याच्या मध्याक जाली. हवामानाच्या पद्दतींत बदल करपाखातीर शास्त्रज्ञांनी वेगवेगळ्या तंत्रांचो प्रयोग करपाक सुरवात केली. 1940-1950 च्या दशकांत संशोधकांनी कृत्रीम कुपांचो आदार घेवन पावस वाडोवपाची आनी दुकळाची परिस्थिती उणी करपाची तांक सोदून काडली. कथेंत लेखक पृथ्वेर रावतल्या मनशाचो फुडार चित्रायता. भारतांतल्या तमीळनाडू , कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी दिल्लींत सरकारान कृत्रीम कुपां आपणावपाचो फुडाकार

घेतलो. मनीस कसो आपलीं पातकां लिपोवपाक सैमाक सुद्दां फटयता हाचें हें एक बेस बरें उदारण.

### 5.1.2. जंगल

**'एके सावळेचें मर्ण'- महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

सैम मनशाक बरें करपाक उर्बा दिता. कथेंतलो दोंगर मनशाक उंच जावपाक उर्बा दिता. गांव सोडून तीस वर्सांनी तो आपल्या गावांत शहरी जिवीत सोडून सासणाक दोंगराच्या गोपांत रावपाक परत आयलो. तीस वर्सा फाटीं आशिल्ल्या गांवचें वर्णन हे कथेंत केलां. दोंगर दरिद्र जाल्ले. झाड- झोंप , झिली-वाली, तण चरव, सुकणीं, सावदां ,वझरो-उदक , जीव- जिवाणी मारिल्लो बंजर पर्वत जाल्लो. हे कथेंत दोंगर मुखेल पात्र जावन मुखार येता. दोंगरार आशिल्लीं झाडां सरकारान कापिल्ल्यान सुकणी धा वाटानी फाफसलीं. झाडां लायतलो म्हण लोकांक आश्वासन दिल्लो सरकार आपलें उतर फाटीं घेता तें पळोवंक मेळटा. झाडां जर परत रोयलीं तरीय पयलींची दोंगराची संपादना आनी संस्कृताय परत मेळची ना. आमचे मंत्री वनमहोत्सवाची संद घेवन लोकांक ' झाडां लायात ' असो उपदेश करतात . मंत्री झाडां लायात ' म्हण सांगतात . जाल्यार गोंयांतली ' झाडा मारात ' अशें कोण सांगतात तर ? अशें कोण सांगनात जाल्यार कोणतरी ती सांगनासतना मारतात असोच ताचो अर्थ जालो . अशी आडबां रानां कापतात

तांचेर कोणाची नदर आसा ? आयज गोंयची स्थिती जर पळयली जाल्यार कथेंत दोंगराची जशी गत जाल्या तशी गोंयांत आशिल्ल्या झाडां पेडांची आनी रानांची. ह्या कथेंत सावळेचें मर्ण म्हणल्यार सुकण्याचें, पावसाचें, कोटी वर्सांच्या संस्कृतायेचो विनाश.

**म्हाबळी-प्रकाळ पर्येंकार (वर्सल)**

हे कथेंत होळयेच्या उत्सवाच्या निमतान गांवच्या लोकांची तयारी चित्रायिल्ली आसा. कथेंत बारकेलो आनी ताची आंबुल्ली मुखेल पात्र जावन फुडें येतात. होळयेक लागून झाड कापपाक जाय आसता. गांवचे तरणाटे होळयेच्या सोदान दोंगुल्ले वेलीं झाडां झोंपां मेळत ते परीं कापतात. दोंगराच्या सकल्या वाड्यांत तांकां फावो तशें बारकेल्याची आंबुल्ली सांपडटा. आंबुल्ली कोणाची? कापपाची काय दवरपाची? हाची चवकशी न करतां ह्या तरणाट्यांच्या पंगडान फुटाक आयिल्ले आंबुल्लेक कापली. त्या आंबुल्लेर रावपी सुकणीं दुसर्या झाडार वचून बसतात. आंबुल्लेच्या सरभोंवतणी आशिल्लीं झाडां सुद्दां तिका कापतना नश्ट जातात. बारकेल्याच्या कानार ही खबर पडटकच ताका राग येता. ती आंबुल्ली ताचें पोट जावन आसता. आंबुल्लेचीं तोरां विकून आपल्या भुरग्यांक लागून तो कानांतलीं रिंगां आनी कपडे हाडटा. होळी खेळटना रागान भरून

बारकेलो झगडपाक मुखार सरता. इतल्यान होळयेच्या भारार गांवचे तरणाटे ताका मारतात. भितर मांडार बारकेलो जीव सोडटा. रक्ताचो शिंवर जाता.

> "हेचे मुखार उत्तम होळी शेंसावचो ना. तिळगो म्हार धोल बडोवचो ना. हो गांव होळी झुजोवचो ना. एक सुतकी झळ गांवभर पातळ्ळी... एक खोसयाळी झुळूक रानभर फांकली..." (पर्येंकार, 125)(पर्येंकार, pg.no.125)

गांवांत ह्या फुडें होळी जावची ना म्हूण रान खोशयेचो स्वास सेडटा. लेखकान आपल्या गावांत जावपी होळयेचेर आदारून ही कथा बरयल्या. होळयेच्या निमतान वर्साक शंबरां वयर झाडां कापपाचो उल्लेख लेखक करता. (जाग, 77)

देव देवसपण, परंपरा आनी होळी सारक्या उत्सवांक लागून मनीस झाडां मारता. अदीक झाडां मारप म्हणल्यार पर्यावरणाक मारप. हे कथेंत गांवचे तरणाटे होळयेचो मुखेल उद्देश विसरुन भोगावळींत सगळयांत व्हडलें होळी कापतात.

**अभयारण्य - प्रकाश पर्येंकाक( वर्सल)**

हे कथेंत वर्सां संखेनी जमनी वसोवन संवसार चलोवपी शेतकाराचें चित्रण केलां. नव्या भूंय - सुधारणा कायद्या विशीं हे लोक अनभिज्ञ आसले. आवडू आनी तिचो चलो वासू हे कथेंतलीं मुखेल पात्र.पात्रां. दोंगरार तेंकून आवडूचें घर

आसलें. गोरवां, कुंकडां पोसून , मळयेंत माड, परिचें झाड आनी केळी रोवन तें आपलें जीण सारतालें. आवडून दोंगरार काजीचीं रेन केल्ली. आपल्य पोट पाण्या खातीर तें दोंगुल्लेचेर निबून आशिल्लें. आवडू रावता ती सुवात सरकाराची हें कळटकच ताका दुख भोगता. आपली जमीन तें सोडून दुसर्‍या गांवांत वचूंक सोदिना. आपलीं शेतां पडिंग उडोवन, मळयेंतलें उत्पादन सोडून, गोरवांक सोडून आवडू खंयच वसूंक तयार जायना. ताचो चलो वासू दोंगर सोडून कमठळ गावांत वचूंक सोदता.

“फॉरेस्टाचे जमनींत आसलेले बाकिचेय गांव सरकार उठोवपाचो आसा खंय. आयज ना फाल्यां आमकांय हो गांव सोडून वयचेंच पडटलें. हरशीं म्हणो ह्या रानांत रावोन कसलो फायदो?” (पर्येंकार, 142) (पर्येंकार,pg.no. 142)

आपल्या आवयक वासू खूब समजावपाचो यत्न करता पूण ती हट्ट दरता. जमनीचीं कागदां पत्रां नाशिल्ल्यान तांकां ती सुवात सोडून वच्चें पडटा. फोरेस्ट ऑफिसर तिच्या घरा नोटीस घेवन येतात.

“जमीनिचीं कागद-पत्रां आसल्यार सरकार तुमकां जमनिचे पयशे दितलें. तुमी केल्लें उत्पन्न आनी घराचो वालोर करून तेंचेय पयशे मेळटले. सरकारान घेतलेल्या निर्णया आड तुमकां वचपाक मेवचें ना.”(पर्येंकार, 146)

आपली जमीन, घर, दोंगर इतल्या वर्सांक सांबाळ्ळून दवरिल्लो तो सरकार व्हरता म्हूण दुखी जाल्लें आवडू गच्च रानांत नाच जाता.

फकत आवडूच न्हय तर हेर जायते समाज आसात जे जायतीं वर्सां रानांत रावल्यात आनी उपरांत पर्यावरण सांबाळपाच्या हेतान सरकारान ताकां पयशे दिवन , बळजबरी करून स्थलांतरीत करतात. मनशांक तांच्या राबित्याच्या जाग्यावयल्यान स्थलांतरीत केल्यार मनशाक मानसीक अडचणी निर्माण जाता. ताका लागून जमनीतेर आशिल्लो कबजो वता, वेवसाय ना जाता कारण थंयच्या सुविधांचेर आदारून मनीस वेवसाय करता, आनी स्वताची अस्मिताय ना जाता.

### 5.1.3. जनावर

**‘बसवो’** हे कथेंत गांवची वेवस्था पळोवंक मेळटा. गोयींद ठाकर हो गांवचो वडील आसता. तो आपल्या बायल, पूत आनी सुने वांगडा रावतालो. नियतीक लागून ही कथा वेगळ्याच मोडणार व्हरून पावता. शेळपेकान्नीचे जात्रेक वचपाक गांवचे लोक मेळून भाड्याची पिकअप करतात, परतीचे वाटेर अपघाताक सांपडून 13 मडीं पातळटात. तातूंत ताचो पूत, सून, नातू अशें वंशूच सोंपता. गोयींद वर्सावळीचो बसवो खेळयतालो. ताचे चार बैल सोमो, शनी, बुधो, म्होरो ताचो जीव आसले. ते आदीं ताचे हे बैल विजेच्या सरयांक स्पर्श जावन मेल्ले आसतात.

ह्या कथेंत गोयींदाचो आपल्या पाड्या विशीं उपाट प्रेम आनी बसवो गावांगावांनी खेळोवन पोटा पुरतें जाडोपाची परंपरांगत रिती रिवाज आमकां दिसून येतात.

"आज ठाकर वाडयेंत घुमतालो तो, तो वोडीत व्हरतल्या पाडकाच्या हामेपाचे आवाज आनी तेच्या फाटल्यान धांवत येतले समतीच्यो, हाम्माऽऽ हाम्माऽऽ"(नायक, 162)

गांवच्या पुर्वजांक आनी पुरूसाक मान दिवपाक कथेच्या अंताक सुमती गायेच्या ल्हानशा पाड्याक घेवन गोयींद ठाकूर बसवो खेळयतना दिसता. ठाकूर गांवचो वडील जावन परंपरागत सांबाळपाचे परिस्थिती कडेन झुजतना दिसता. वंश चलोवपाचो हावेस निर्वंश जाल्ल्याची जाणविकाय, गांवच्या लोकतत्वाची राखण आनी नियतीची विपरीत रीत ह्या सारखिल्ल्या घटकांनी ही कथा अदीक परिणामकारक केल्या. आपल्यो रिती परंपरा चलोवपा खातीर एका ल्हानशा पाडकाचेर जाल्लो अन्याय आमकां पळोवंक मेळटा. एकेवटेन आमच्या संस्कृतायेंतल्या 'बसवो' आनी 'बसवोकार' ह्या परंपरेचें चित्रण करपावांगडाच, कथानायक गोयिंदाच्या दुख्खाचें दर्शन घडोवप हो कथेचो मुखेल हेतू आसा. तशेंच मनशाच्या मध्यस्तीक लागून बैलांचें मरप आनी जनावराचें मरणाक लागून गोयिंदाचेर जाल्लो परिणाम ह्या कथेंत दिसून येता.

**'घोंटेर'- प्रकाश परेयेंकार (वर्सल)**

"कौए को वायर क्यू चाहिए? ताच्या मनाक प्रस्न पडलो. मागीर कांय दीस तो कावळयांचें निरिक्षण करपाक लागलो. एक दीस तेच्या प्रस्नाची जाप मेळळी. हे शारांतले कावळे घोंटेर बांदपाक बड़यो व्हरपाचें सोडून वायेरी व्हरून घोंटेर बांदतात!" (पर्येंकार.pg.no.,32)

शारांत रावपी आनी गावांत रावपी मनशाची वसणूक वेगळी आसता. त्याच तरेन गावांत. मेळपी वस्तू शारांत मेळनात जाल्यार शारांतलो म्हल गावांत. ह्या दोनाय मदलो फरक दाखोवपाक अशीच एक कथा म्हणल्यार घोंटेर. ह्या कथेंत पणजे शाराचें चित्रण केलां. उदरगत जाल्ल्यान थंय झाडां व्हड इमारती आनी रस्ते दिसतात. काणकोण गांवचो गोविंद पणजी शारांत रावपाक लागल्यार सात वर्सां जाल्लीं. शारी जिवन पळोवन उबगल्लो. थंय पळोवपा सारकें आशिल्लें तें म्हणल्यार 'म्युन्सिपालिटीचें गार्डन' जंय लोकाचें येवप वचप जातालें. ह्या गार्डनांतल्या आंब्याच्या झाडार कांवळयान घोंटेर केल्लो सरयांचो. दोग घांट्यांची पोरां कावळयाचो घोंटेर पिसळटात तें पळोवन गोविंद अस्वस्थ जालो. घोंटेर पिलां बरोबर सकयल पडलो तेन्ना भुरगीं घोंटरांतल्यान कितें तरी पुंजायतात तें दृश्य गोविंद फ्लटांतल्यान पळयता. कांवळयाच्या पिलांक मरण येता. ह्या कथेंत घोंटेराक लागून कावळयांचो पिलां सयत नश्ट जावपी संवसार जालियार दुसरे वटेन पोटाक लागून त्याच घोंटेरांतल्यान लोखंडाच्यो सरी पुंजावपी भुरग्यांची

मानसिकता आमकां दिसून येता. नकळत कांवळयाचो संवसार नश्ट करतना ताच्या जिवाचो विचार भुरग्यानी केल्लो ना कारण स्वताच्या परिस्थितीकडेन तीं तडजोड करतालीं. जाल्यार दुसरे वटेन सुकण्याच्या घोंटेरांत विंगड विंगड पदार्थांचो आस्पाव जाता, तातूंत बड्यो, पानां, तण सारकिल्ले सैमीक पदार्थ तशेंच तार, लोखण, प्लास्टीकचे कुडके लेगीत मेळटात. लोखणाच्या तारांक लागून घोंटेराक स्थिरताय आनी आदार मेळूं येता, खास करून शारांतल्या वाठारांनी जंय अशो वस्तू सहज मेळटात. तशेंच कथेंत कावळयाच्या घोंटेरांत वायरी आनी तार मेळप म्हळयार थंयच्या वाठारांत जाल्लें शारीकरण. असले पदार्थ वापरले जाल्यार सुकण्या जिवांक धोको निर्माण जावंक शकता.

**'मनशाच्या गावांत' – दामोदर मावजो (सपनमोगी)**

कर्नाटकांतलो हलसिद्धू बापायच्या सांगण्या प्रमाण बैलांक खाटकाच्या सुवाधिन करपाक गोंयची वाट धरता. वाटे वयल्यान ताचो एक बैल ट्रकाक सांपडून ताच्या कोमराचीं हाडां मोडटात. बैल काकुळटायणी नदर घेवन हलसिद्धूक पळयता पूण ताका घर संवसार करपाचो आसता. देखून कशेय तरेन बैल मरचे आदीं खतलाकडेन दिवपाचें येवजिता. वाट माड्डीताना गोंयांत येवन काम करून चार पयशे जोडपाची सोंपना पळयतल्या मनशाची ही कथा. गोंयांत पावले उपरांत

हलसिद्धू खुशाल जाता पूण बैलांक विंकून पयशे करपाचो हावेस ताचे खातीर विध्वंसक जाता. वाटेर ताका एक सभा जाल्ली सांपडटा.

> "मोनजातीचो मोग करात. जनावरांक पिडापीड करू नाकात. दुसरो करता जाल्यार आडायात. कायदो तुमचे वटेन आसा. लिपचोरयां कास करतात तांकां लावन दियात. जिबेचे लाड करतना जनावरांकूय दुखता हें आमी विसरतात. कुकडां-बोकडांक बळी दिवप बंद जावंक जाय. गायो-बोकडां मारून खातात ताकाय आळाबंद जाय. सभेक आयिल्लो कोण तरी ताळो सरांटून आङ्डलो,
>
> - तेवटेन रस्त्यार पळयात. गोरवांक खाटीक खान्यांत व्हरतात!"(मावजो, 42)

ते सभेक मोनजातीच्या हिताक आनी तांकां सांबाळपाक लागून भाशण चलतना हलसिद्धू ह्या सभेच्या भकीक पडटा आनी ते ताका मारतात. भास खबर नाशिल्ल्यान आपल्याक मार पडपाचें कारण ताका खबर नासता. गाय कांय जाणांक गोमाता जाल्यार कांय जाणांक अन्न आनी पयशे जोडपाचें साधन. समाजांत आयज सुद्दां खुबशे लोक गोरवांचें मास खातात. प्रिवेंनशन ऑफ काउ स्लॉटर एक्ट(Prevention Of Cow Slaughter Act) 1978 प्रमाणें गोरवांची राखण करपाक सरकारान उपाय काडल्यात जाल्यार आयज गोंयचीच जर देख घेतली जाल्यार गोरवां वासरांक रसत्यार सोडून

घातल्यांत ह्या कारणाक लागून लोक अपघाताक सांपडटात, दुसरे वटेन वाठारांत हळशीक पातळायतात हाचेरूय सरकारान उपाय काडून गोरवांचेर नियंत्रण दवरपाक खूब गरजेचें जालां.

**टिप्पणी**: गोंयांत गोवा, दमन आनी दीव प्रिवेंशन ऑफ काउ स्लॉटर ॲक्ट , 1978 प्रमाण गाय, वासरां, बैल हांचे कत्तल करपाक बंदी आसा. राज्यांत गोरवांचो कत्तल आनी गोमांस विकपाक पुरायपणान बंदी हाडप ह्या कायद्याचो हेत आसा. तेभायर गोंय सरकारान गोरवांची राखण आनी प्रसार करपाखातीर वेगवेगळे उपाय केल्यात, तातूंत गोरवांच्या बाजारपेठेचें नियंत्रण करप आनी जनावरांचेर जावपी क्रूरपणाआड कायदे चालीक लावप हांचो आस्पाव जाता.

**'खाटकागेर एक रात'- पुंडलीक नायक (अर्दूक)**

खाटकाचो वेवसाय करतल्या मनशाची ही कथा. चार पयशे कमोवपाक मेळटा तें पळोवन जाणटेल्यान गांवांत गायो मारपाचो धंदो सुरू केल्लो. गावांत मास खावपी लोक चड आशिल्यान हो वावर खाटकान नेटान फुडें व्हेलो.

"आतां ह्या पोराचे कातरून वांटे घाल. राती तुंवे हाच्या दुदाचो गाय कापून आतां हांगां वांटे घालून बसला !"(नायक,73)

पयशांची आस जातकीच खाटकान एका दिसा दुदाचेर पोसतल्या पाडकुल्याचे आवयक मारता. तशेंच मेळत तांच्यो गायो, बैल मारपाक लागता. ही खबर गांवांत कळटा. खाटकाचो धंदो बंद पडटकच ताची बायल ताका हिणसायता…

> "खाटकाचो संवसार म्हणजे बाप्पा शिवराकालो संवसार न्हय. गोरवांचें रक्त भळभळटा तशे दुडू पांयांकडेन खळखळपाक जाय" मनशाची क्रूरताय आनी निर्दयपणाची वृत्ती आमकां दिसून येता."(नायक,74)

गोरवांची मान कापता तशी मनशाची मान कापपाक खाटकाक प्रस्ताव येता ,ताची ताका सुपारीय मेळटा. खाटक प्रस्ताव फाटीं घेतल्या कारणान बायल ताका सोडून वता. गांवांत मान कापून खून जाल्ल्याची खबर पातळटा. लोक खाटकाचेर दुबावतात. (गोरवांक मारपाची बंदी तशेंच मासाचेर बंदी गोंयांत 1978 ह्या वर्सा जाल्ली. हाचोय संदर्भ केल्लो आमकां पळोवंक मेळटा.) मनीस संवसारांत जगपाक आपल्याक जमता ते परीं वेवसाय करता. हे कथेंत खाटकाचो वेवसाय करपी मनीस लेखकान चित्रायला. खाटीक म्हणून वेवसाय करतना हो मनीस आपलिय धंद्या कडेन पयलो प्रमाणीक आसता उपरांत पयशाच्या आशेक लागून वाटसूरीं रानांतलीं गोरवां , पाड्यांक मारपाक लागता. पोटा खातीर गोरवांक मारप वायट न्हय पूण हाता भायर वचून अदीक गोरवांक मारता तेन्ना ताका क्रुरताय म्हणटात. हे कथेंतल्या खाटकान पाडकुल्ल्याचे आवयक मारून तिचे मांस व्हरून

विकता. धंदो करप म्हत्वाचें पूण तें करतना हेर जिवांची काळजी घेवप, चवकशी करप अदीक म्हत्वाचें.

**'नागसर्प'- महाबळैश्वर सैल (दोन मुळाचें झाड)**

ह्या कथेंत नागाक मनशाच्या वासाच्या सोदक गेल्ले कडेन मरण येता. कथेंत एक बापूय आपल्या पुता शिवा वांगडा नागसर्पाची दाली, मुंगूस आनी पुंगी घेवन तांकां खेळोवपाचो धंदो करता. मुंगूस मेले उपरांत हो धंदो बंद पडटा. बापूय मांडणी काडटा. नागाक लोकांच्या भागेंत व्हरून सोडटात. नाग येला म्हण लोकां कडल्यान पयशे घेता. बापूय मेले उपरांत सोरपाक घेवन चलो धर्माच्या नांवान पयशे एकठांयता. रान खात्याचे अधिकारी सोरपाक आनी भुरग्याक घेवन दोंगरार सोडपाक वतात. भुरगो सांगिल्ले प्रमाण करता. सोरोप मनशां वस्तींत जियेल्लो देखून दालयेंत स्वताक सुरक्षीत मानता. भुरगो सेगीत तीन दिस दोंगरा वटेन सोरपाच्या सोदान वता. पूण सोरोप मनशाचो वेध घेत गांवटेन पावता. सोरोप विखारी म्हूण ताचे दांत काडून ताका गांवचे लोक मारतात. सोरोप त्या भुरग्याचो इश्ट आनी पोट आसता. हे कथेंत जनावरांचेर जाल्ली क्रुरताय आनी तांचो गैरवापर जाल्लो पळोवंक मेळटा. कथेच्यै सुरवेक शिवा आनी ताचो बापूय नागाक आनी मुंगुसाक मनोरजना खातीर वापरतात. तातूंतल्यान पयशे जोडटात. मुंगुस मेले उपरांत धंदो बंद पडटा तेन्ना शिवाचो बापूय नागाक लोकांच्या भागेंत व्हरून सोडटात. त्या नागाक भियेवन लोक ताका मारूंक सोदतात. पूण शिवाचो बापूय आपूण रक्षक जाल्ले वरी येवन ताका वाटायता.

लोक उपरांत ताका पयशे दितात. शिवाचो बापूय मेल्ले उपरांत शिवा नागाक लोकां मदीं व्हरता आनी नाग आमचो देव म्हूण पयशे मागता. हें हांगाच थांबना कारण खंयच्याय जनावराक मनशां मदीं रावपाची संवय लागल्यार तें थंयच रावपाक सोदता. नाग हरशीं रानांत रावपी मोनजात पूण कथेंत सगळे वेळार तो मनशां मदींच आसता. देखून निमाण्या वेळार सुद्दां जेन्ना ताका शिवा रानांत सोडटा तो परतून मनशाचो सोद घेत शाराचे वटेन परतता.

तशेंच नागाक पोसपाची, खेळोवपाची वेवसाय अमुकच जमातीन करपाक जाय अशी ना जंय जनावरांक दुख दिवन तांचो गैरवापर करून पयशे कमयतात त्यो वेवसाय बंद करूंक जाय.

**टिप्पणी**: जनावरांचें शोशण करप म्हणल्यार जनावरांक हानी वा त्रास दिवपी खंयच्याय हेतून वा बेपर्वा केल्ली वागणूक. हातूंत जनावरांचेर शारिरीक अत्याचार, दुर्लक्ष, जनावरांक सोडून दिवप, मनरिजवणे खातीर वा फायद्या खातीर शोशण करप हांचो आस्पाव जाता. सरकार जनावरांचो दुरुपयोग अनैतिक मानता आनी जायत्या न्यायालयांनी तो चड करून बेकायदेशीर थारता.

### 5.1.4. जमीन

**'निमणो अश्वत्थामा'- महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

"To damage the Earth is to damage your children"- वँडल बॅरी (Wendell Berry)

झुज हें मुखेलतायेन पर्यावरणा सयत जिणेच्या जायत्या आंगांचेर ताचो परिणाम जाता. झुजा वेळार आनी झुजा उपरांत वेगवेगळ्या घटकांक लागून पर्यावरणाक खूब त्रास जाता. कथानक तिसरें म्हाझुजाच्या संदर्भांत आसा. झुज फुडारांत जावपाची शक्यताय लेखकान आपल्या कल्पनेंतल्यान कथा तयार केल्या अशें म्हणूं येता. झुजांत वापरिल्ल्या वेगवेगळ्या शस्त्रांक आनी रसायनांक लागून पर्यावरण नश्ट जावपाचें आशिल्लें. झूज जाता तेन्ना वनस्पत, जनावरां, सुकणीं, जमनी सयत पुराय पर्यावरण नश्ट जाता. वेगवेगळे प्रकारचे प्रदुशण जातात आनी ह्या प्रदुशणाक लागून मनशाक आनी जिवांक रावपाक हानीकारक वातावरण तयार जाता.बॉम्बस्फोट आनी आर्विल्ल्या झुजाच्यो हेर पद्दती रानवटी जनावरांक आनी जैवविविधतायेक थेट हानी करतात. झुजाक लागून जावपी प्रदुशणाक लागून उदक, माती आनी हवेक दूषितताय येता आनी लोकांक रावपाक वाठार असुरक्षित जाता. हाचें एक भेस बरें उदारण म्हणल्यार ऑगस्टाच्या स'वेर 1946 ह्या दिसा हिरोशिमा आनी नागासाकीचेर जाल्लो बॉम्बस्फोट जाचो परिणाम आयज मेरेन लोक सोंसतात. फक्त लोकांचेरूच न्हय तर थंयच्या जिवावळींचेर, पर्यावरणाचेर बरोच प्रभाव पडिल्लो. झुजाचो पर्यावरणाचेर पयलो परिणाम म्हळ्यार जमनीचें

लुकसाण, बॉम्ब आनी हेर शस्त्रांक लागून व्हड प्रमाणांत जमीनचो उपेग निरुपयोगी जावंक शकता. तांकां लागून वनस्पत आनी जनावरां नश्ट जावंक शकतात. जाका लागून जिवीत परत येवप कठीण जाता. हाका रावपाची सुवात नाश अशें म्हण्टात. झुजाक लागून जावपी पर्यावरणाचो नाश जाता ही खंत लेखकान परगटायल्या.

**'आनीक एक हिमयुग' - महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

ह्या कथेंत लेखकान काल्पनीक रूपान सैम साठ ते सत्तर वर्सांनी कसो आसतलो तें चित्रायल्लां. कथे परस वैचारीक लेख लेखकान मांडला अशें आमच्यानी म्हणूं येता. आपल्या सुखांक लागून मनीस धर्तरी इबाडटा. वर्स 2102 ह्या काळांत कथेंत पर्यावरण मरपाक पाविल्लो काळ मांडला जंय हवामानांत बदल घडपी घडणुकांचो लेखक उल्लेख करता. धर्तरेच्या वेग वेगळ्या वाठारांत उदकाची समस्या जाल्ल्या कारणाक कांय कडेन हुंवार जाल्यार कांय कडेन सुकल्या अशें वर्णन केलां. पर्यावरणांत कचरो ,उदकांत उद्देगीकरणाचें तेल तशेंच हवेंत कारखान्याचो धुंवर अशा साबार गजालींक लागून नश्ट जाल्ले धर्तरेचें चित्रण केलां. 2129 हो काळ मेरेन विभिन्न् प्रकाराचे रोग आनी दुयेंसाचो उल्लेख केला. वाडट्या लोकसंख्येक लागून साधन सुविधाचो उणाव अशा प्रकारान काळांत फुडारांत येवपी सैमीक संकश्टाचेर लेखकान भाश्य केलां. एकंदरीत, पर्यावरणीय आव्हानांक तोंड दिवपाखातीर आनी टिकावूपणाक चालना दिवपाखातीर व्यक्ती,

सरकार आनी संघटनांनी केल्ल्या कृतीचेर धर्तरेच्या पर्यावरणाचे फुडार आदारून आसता. वेवस्थापनाक प्राधान्य दिवपी धोरणां आनी पद्दती चालीक लावून, आमी चड टिकावू आनी लवचीक फुडारा कडेन वावुरूंक शकतात.

**'पेट्टी सावळी'- - महाबळैश्वर सैल (बायनेट फायटींग)**

शकुंतला हे कथेंतलें मुखेल पात्र. ताच्या घोवाचो कारवार सावन दुसऱ्या वाठारांत स्थलांतरण जाले उपरांत शंकुतलाच्या वांट्याक आयिल्लो संघर्श कथेंत मांडला. ह्या गांवांत उदकाची समस्या जाल्ल्यान गांवच्या लोकांक टेंकरांतल्यान उदक दिवप जातालें. हवामानांत बदल घडिल्ल्या कारणाक लागून पर्यावरणाचेर परिणाम जाल्लो. शेतां सुकिल्लीं , रित्यो बांयो आनी करपून गेल्लीं तळीं पळोवन तें दुखी जाल्लें. उदक ना जावन लोक तान्नेल्ले, तानेन भुकेन गोरवां वासरां वळवळटालीं. गोरवां भागिल्लीं तें पळोवन खंयच्याय खिणाक कोसळून पडटलीं अशी गत जाल्ली. फूल फुलनाशिल्लो पडींग गांव जाल्लो. शकुंतला सैम मोगी. अशा परिस्थितींत शकुंतला आंवाळ्याचें झाड रोयता पूण तें वतान करपता. गावांत एक सावकार आसता. उदक ना जाल्ल्यान गोरवांक खावड मेळना म्हूण लोकांक फटोवन तो पयशां खातीर गोरवांक दुसऱ्या गांवांत व्हरून खाटिकाक विंकता. शकुंतला गुरवार आसता. सैमाचें वांजपण पळोवन शकुंतला जियेवपाची आस्त सोडून दिता. कांय लोक गांव सोडून गेल्ले. कथेच्या अंताक दरिद्र धर्तरी, फटकीरें

मळब , झाडां पानार तांबडो धुल्ल पळोवन आनी वताचो रखरख सोंसूंक जायना जावन ताचो गर्भ मरता. मनशाच्या कर्मांक लागून पर्यावरणांत बदल घडटात तांचो परिणाम मनशाचेर जाल्लो लेखकान चित्रायल्ला.

**'भूंयसुवात' - महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

जमनीचें मोल आयच्या काळांत मळबाक तेंकता. अशा परिस्थितींत गरीब मनीस तर कितें करचें हो प्रस्न हे कथेंतल्यान मांडला. कथेंच्या पयल्या भागांत गांवचें वर्णन केलां. धनगर समाजाचें चित्रण करतना भूंये विशीं पिशें लागिल्ल्या हरिलालाची ही दुखाची कथा मांडल्या.तो दुसऱ्याच्या शेतांत काम करून जगतालो. ताका भुंयेचो इल्लो कुडको आपल्याक जाय कसो दिसलो. शार गांवाक तेंकिल्लें. शारांतल्या व्हड इमारती गांवांतल्यान दिसताल्यो. शेतकार शेतां सोडून शारांत गेल्ले. जमीन तशीच बंजर सोडिल्ली. थंय वचून नोकरी - धंदो करूंक लागले. हरिलाल शेतांतलें काम सोडून बांदकाम करूंक लागलो तशेंच लग्न जालो. रस्त्यार, ताळपत्रेर न्हिदून दिस काडटालो. ताका एक चलो जालो. घर- जेवण खाण नाशिल्ल्यान भुरगो दुयेंत पडलो आनी जोर तकलेक मारून मेलो. पुताक पुरूंक फोंड काडटा म्हणसर कोणतरी भुरग्याविशीं वासपूस करता, पुलिसांक हाडटलो सांगून धमकायता म्हूण हरिलाल भुरग्याक दोंगुल्लेर व्हरून पुरता. ताका थंय पुरपाक सुवात मेळ्ळी म्हूण खूश जाता. वेगळी परंपरा कथेंत

आयिल्ली दिसता, मेल्ल्या भुरग्याच्या फोंडार सात दिस दुध व्हरून घालपाची परंपरा आसता. हरिलाल दुध घेवन वता तेन्ना सुण्यांनी फोंड उसपून कुड पिसडून खालेली मेळटा. आपल्या ल्हान बाळकाची ही दशा पळोवन ताचें काळीज चरचरता. सैम कोणाचोच न्हय ताचेर अधिकार फक्त मोनजातींचो. लोकांनी आशा, दुस्वास आनी सुवार्थाक लागून धर्तरेची वांटणी केल्या हरिलालाक भूंयेर एकय कडेन सुवात मेळना जो ताका आपलो कसो म्हणूं येता. भूंयेर इल्ली सुवात मेळोवपाक लागून हरिलालचो संघर्श हे कथेंत दिसता.

### 5.1.5. जन

**'कवाथो'- जयंती नायक (आर्त)**

हालींची पिळगी शिकून सवरून व्हड जातकच, चड पयशे कमोवपाच्या हेतान भायल्या देशांत स्थायीक जावंक सोदतात. बऱ्याच फावटी आपले आवय - बापूय, आपलो गांव आनी देश ह्या विशींची लागणूक विसरतना दिसतात. स्वताचीं ध्येयां साध्य करतना आपलीं मनशां आनी आपली माती हाचे कडेन आशिल्लें नातें तोडटात. अशा वेळार सुरेखा नांवाची बायल एक मलेशियन जातीचो कवाथो ऑफिसांतल्यान हाडून घरा मुखार रोयता. त्या कवाथ्याचे नाल्ल आपल्या चल्याक आनी ताच्या कुटुंबाक उपकारतले हें समजून त्या कवाथ्याची बरी जतनाय घेता. तशेंच तिणें आपल्या घरा भोंवतणी हेर प्रकाराचीं झाडां आनी

रोंपे लायिल्ले. हाचे वयल्यान सुरेखाची झाडां विशीं मोग दिसून येता. सुरेखाचो चलो वेद कार्डियाक सर्जन जाता आनी अमेरिकेक स्थायीक जाता. आपलो चलो येवपाची वाट सुरेखा कवाथ्या लागीं उबें रावून पळयता ताचेर हात भोंवडायता. एकसुरें पडिल्लें सुरेखा हे कथेंत कवाथ्याक आपलो भुरगो कसो मानता. आपलीं भावना तें कवाथ्या कडेन व्यक्त करतना दिसता. हे कथेंत सैम मनशाचो इश्ट आनी सांगाती जाल्लो आमकां दिसून येता.

**'आनी ते पोट घेवन गेले'- प्रकाश परेयेंकार (वर्सल)**

हे कथेंत चित्रायिल्ल्या गांवांतलीं पात्रां संकुचीत वृत्तीचीं. भायल्या लोकांनी ह्या गावांत येवन कसलोच वेवसाय धंदो चलोवप ना अशा ह्या गांवच्या लोकाचो समज आशिल्लो. म्हादय न्हंयत मेळपी हुंदां सांपळयाच्या आदारान धरून वोंस काडपी एका जमातींतल्या (घांटीं) लोकां कडल्यान गांवच्या बैलाचो पांय सांपळयांत फारवता. हुदांच्या वोसाची हो वेवसाय आपल्या म्हादय न्हंयचेर घाटीं येवन चलयतात हें निमीत सोदून गांवच्या लोक ताका मारपेट घालतात.

"कितलींय संकश्टां येयलीं तरी सांपळे कोणाक दिवं नाका. आनी कशे लाकचे हेंवयू कोणाक सांगों नाका. आमचें पोट तें."(पर्येंकार, pg.25)

तांचें धंद्याचें मुखेल सादन म्हणल्यार सापळें घेवन गेले. ही कथा वेगळयाच विश्वांत व्हरता. ह्या जमातीच्या वांट्याक येवपी दुखाची परवड हे कथेंत येता. खुबशे

पारंपारीक वेवसाय सैमाचेर आदारून आसतात. देखीकः शेतकार, नुस्तेकार, सुतार आदी सैमाचेर आदारून आसतात. सैमांतलो खंयचोय घटक उणो पडल्यार तांकां लुकसाण जाता.

**'चंद्रकोर'- प्रकाश परेयेंकार (वर्सल)**

हे कथेंत आदिवासी समुहंतलो वानरमाऱ्या प्रजातींतलो मनीस पोटाची खळगी भरूंक अनवळखी वाठारांत पावल दवरता. चंद्रें हें कथेंतलें मुखेल पात्र. चंद्रें आनी गांवचो हेर लोक दोंगरार लाकडां मारपाक वतात. थंय चंद्र्याच्या नदरेक वानरमारो सांपडटा. गावांत पावतकच वानरमाऱ्यान चंद्र्याचेर हात घातला म्हूण गांवचे लोक  फाम घालतात. थंयचे लोक वानमाऱ्याक सोदून ताका बडयतात आनी देवळाच्या सामकार आंब्याक बांदतात. गैरसमजाक लागून वानमाऱ्याक बडयलो आनी आपूण हो अन्याय पळयत ओगी रावलें म्हण चंद्र्याक पश्चाताप जाता. तें ताका मध्यान राती सोडोवपाक वता, मायेन ताच्या आंगार चादर घालता. मायेचो स्पर्श आनी मनीसपणाचीं भावना हे कथेंत दिसून येता.  हे कथेंत फकत मनीसपणाचीच न्हय तर एका विशिश्ट समुहचो उल्लेख केलो जो महाराष्ट्र राज्यांतल्यान गोयांत एका काळार स्थायीक जाल्लो. ह्या समजाचें पुराय जिवीत रानांतल्या उत्पादनाचेर आदारून आसता.

**'भुरगीं म्हगेलीं तीं'- दामोदर मावजो (भुरगीं म्हगेलीं तीं)**

जयंती नायक हांच्या 'कवाथो' कथे सारकी कथा म्हणल्यार 'भुरगीं म्हगेलीं तीं'. रोजालीन नांवाची बायल आपल्या तीनूय भुरगीं भायल्या देशांत कामाक गेल्यात देखून तांचे यादीन कवाथे रोयता. खूब तेंप जाल्ल्यान आपल्या भुरग्यांचे चिटयेची वाट पळयता. कवाथे माड जातात. तांकां वेळा वेळार उदक सारें घालून तांका व्हड करता. पयलीं बांयच्या उदकान शिंपप जातालें जाल्यार नळ येतकच पायपान शिंपूंक लागलें. हे माड रोजालिनाक अखंड सांगात दिताले. तिनूय भुरग्यांच्या नांवान रोयिल्ल्या कावथ्यांचे माड जाल्ले. भुरगीं पयस दिगंतरा पाविल्ल्यान हांकांच भुरगीं कशीं लेखून तांचेर माया करतलें. माडांक नांवां लेगीत भुरग्यांचींच दवरिल्लीं. माड रोयिल्ल्या सुवातेर लँड एक्विझिशनाचो नोटीस मेळ्ळी म्हणटकच ताका धपको बसलो. जमीन खुबशा लोकांनी दुडवांच्या आशेन विंकली पूण रोजालीन हट्ट दवरून रावलें. सरकारी कर्मचाऱ्यांच्या आंगार गेलें. माडाक वेंग मारून रडलें. पूण निमाणे कडेन तिनूय माड आनी हेर झाडां रेल्वे लायन प्रोजेक्टाक लागून धपक्याच मारून उडयलीं.

"ना, हांव माड कातरूंक दिवपार ना. पयलीं म्हाका माराय. मागीर म्हुगेल्या भुरग्यांक."(मावजो,47)

भुरगीं जेन्ना भायल्या देशांत वतात तेन्ना आवय बापूय एकलीं पडटात अशा वेळार माडाक आपलीं भुरगीं समजून ताचें विशी उपाट प्रेम , ओड आनी

माया आशिल्लें रोजालीन निमाणे कडेन माडांक वाटोवपाक जाण्टेपणच्या वंयार झुजता तें दिसून येता.

**'मिंगेलीलीं घरचीं'- दामोदर मावजो (भुरगीं म्हगेलीं तीं)**

मिंगेल आपल्या बायले वांगडा रावतालो. सरकारी कचेरींत प्युन आशिल्लो. उपरांत रिटायर जावन घरांत आशिल्लो. मिंगेलीक दोग भुरगीं. चली लग्न जावन परदेसांत पावलें जाल्यार चलो बिजनेस चलोवपाक पयशे दिना म्हूण घर सोडून गेल्लो. मिंगेल आनी ताच्या बायलेक झाडां पेडां आनी जनावरां आवडटालीं. मिंगेल घरांत येतल्या कांवळ्यांक सदांच शीत घालतालो. तांचे कडेन कुकडां- दुकर , आंबो, माड आशिल्ले. आंबे विखून , नाल्ल पाडून तो पयशे जोडटालो. ताका सदांच साळोरी मेळपाक येताली, पूण ती अशी येवप हें चिंतून तो गोंदळटालो. ताच्या भाटांत एक माड सुकिल्लो. वांशे करून पयशे मेळटले म्हणून ताणें सालूक विंकिल्लो पूण साळोरेचो घोंटेर आनी तातूंत पिलां आशिल्ल्याची खबर जाणवतकच तो माड कापपाचो बंद करपाक लायता आनी सालूचे पयशे परतून दिता.

"पिलांक उडोंक शिकों दी. मागीर व्हर तूं तो माड. आनीक थोडेऽ दीस..." (मावजो,68)

मिंगेलाची सुकण्या विशीं संवेदनशीलताय दिसून येता. पर्यावरणांतल्या वेग वेगळ्या घटकांतल्यान वेग वेगळयो वस्तू उत्पन्न जाता. मनीस त्यो विंकून वा वापरून आपलें पोट भरता आनी भरीत आयला. हें करतना मनशान फकत आपलीच न्हय तर पर्यावरण आनी तातूंत रावतल्या हेर जिव जंतूची काळजी घेवंक जाय अशें हे कथेंतल्यान दिसून येता.

**'सैमपुरूश'- महाबळैश्वर सैल (निमणो अश्वत्थामा)**

हे कथेंत मनीस एकटोच रानांत रावता. तो पर्यावरणाचे नेम पाळटालो. तो हेरांक उदरगत आनी मनशाच्या वायट कृतींक लागून सैमाक कितले त्रास सोंसचे पडटले हाची जाणविकाय करून दितालो.

तो सैमाची पुजा करतालो आनी ताका देव म्हूण मानतालो. तो रावतालो तें रान मनशांनी नश्ट केल्लें. ताच्या जमातींतल्या लोकांनी ताका एकटो सोडून गांवा लागीं रावपाक सुरवात केली. शेती शिकपाक लागले. पयलींच्या काळार दोंगराची अर्दी जमीन आपल्या वसणुके खातीर आनी अर्दी जमीन जनावरांक आनी सुकण्यां खातीर कशी दवरताले. सुकणीं आनी जनावरां खातीर दवरिल्ल्या सुवातेर ते केन्नाच प्रवेश करनाशिल्ले. सैमाची देणी जगपाक वापरतालो. जाका लागून ताची भलायकी बरी उरताली. आंगान घटमूट उरतालो. हे कथेंत आमी पळयतात रानटी लोकांचें जिवीत कशें गांवांत स्थलांतर जाले उपरांत बदल जातात. ह्या विशिश्ट पंगडान पाळिल्ल्या मरणाच्या संस्कारांचेरय

आमकां वाचपाक मेळटा म्हणल्यार - आपलें जिवीत पुरायपणान जगले उपरांत मर्णा वेळार फोडांत बसयताले आनी उरिल्ल्यांक तांकां पुरपाक सांगताले.

# प्रकरण 6: समारोप आनी निश्कर्श

## समारोप

'कोंकणी कथेंतल्या पांच ज'आंचो अभ्यास' करतना पर्यावरणाचे पांच घटक 'जल', 'जंगल', 'जनावर', 'जमीन' आनी 'जन' नदरे सामकार दवरून प्रबंदिकेचो वावर जाला.

**पयल्या प्रकरणांत** पर्यावरणांत जावपी बदल पळोवन पर्यावरणाचे प्रस्न, तातूंत जाल्ले परिणाम कितल्या प्रमाणान कोंकणी कथेंत मांडल्यात हो ह्या सोद वावराचो मुखेल हेतू जावन आशिल्लो. प्रस्तूत सोद वावराच्या पयल्या प्रकरणांत प्रस्तावना, अभ्यासाचो आवाठ आनी मर्यादा, अभ्यासाचीं उद्दिशटां तशेंच सोद वावराचेर आदारून हेर साहित्यीकाचें साहित्य नियाळ्ळां. संशोधनाचो आराखडो आनी प्रकरणाची मांडावळ हें सगळें पयल्या प्रकरणांत आस्पावता.

**दुसऱ्या प्रकरण** समिक्षा आनी साहित्य हाचेर आदारून आसा. समिक्षेची व्याख्या आनी स्वरूप मांडिल्लें आसात, समिक्षेचे वेगवेगळे प्रकार जशे तुलनात्मक समिक्षा पद्दत, समाजशास्त्रीय पद्दत, इतिहासीक पद्दत.आदी. तशेंच ह्या प्रकरणांत समिक्षेचे प्रवाह मांडिल्ले आसात देखीक, मार्क्सवादी समिक्षा, पर्यावरणीय समिक्षा पद्दत आनी मानशास्त्रीय समिक्षा पद्दत.

**तिसऱ्या प्रकणांत** साहित्य आनी पर्यावरणाचे नात्या विशीं भाश्य केल्लें आसा. पर्यावरणाचे पांच घटकः जल, जंगल, जनावर, जमीन आनी जन हांचे विशीं बरयिल्लें

आसा. कथा आनी तिच्या रचणुकेंत पर्यावरणाची कसली भुमिका आसा हें मांडिल्लें आसा. तशेंच सैम प्रतीक म्हणून कथेंत कसो मांडला तें बरयलां. पर्यावरण आनी मनशाचें नातें हाचे विशीं चर्चा जाल्या.

**चवथ्या प्रकरणांत** अभ्यासाक लागून वेंचिल्ले कथाकारांचीं वळख दिल्ली आसा. तांचो जल्म, शिक्षण, कार्य आनी साहित्यीक वावर (कोंकणी कथेच्या मळार) म्हायती दिल्ली आसा. हे पांच कथाकार म्हळयारः पुंडलीक नारायण नायक, दामोदर मावजो, महाबळेश्वर सैल, जयंती नायक आनी प्रकाश पर्येकार.

**पांचव्या प्रकरणांत** कथांचें वर्गीकरण केल्लें आसा पांच ज'अंच्या घटकां प्रमाणे. हातूंत वट्ट 23 कथा आसात. 'जन'- स कथा, 'जंगल'- तीन कथा, 'जनावर'- पांच कथा 'जमीन'-चार कथा 'जल'- पांच कथा

**सव्या प्रकरणांत** समारोप आनी निश्कर्श मांडला आनी निमाणे कडेन सोद वावर करपाक वापरिल्ले संदर्भ. चडशो कथा गोंयच्या सैमाचेर आदारून आसात.

## निश्कर्श

गोंयचो सैम, गोंयचो मनीस, मनशाचो वेवसाय, विशिश्ट संस्कृताय, बैल आनी दुकरां, कुकडां पोसपाचीं मनशां आनी गोंयचें वातावरण चित्रायिल्लें आसा. जमीन आनी जंगल ह्या घटकाचेर आदारून खूब उण्या प्रमाणान कथा बरयिल्ल्यो मेळटा. जनावर घटकाचेर खूब कथा बरयल्यात ज्यो काळजाक हात लावन वतात. सगळ्याच कथानी

मनशाचें चित्रण केल्लें आसा. मनशाची वृत्ती, ताचें मानस आनी पर्यावरणाक दुखोवपा फाटलीं कारणां कथांनी मांडल्यात. सैमाचेर आदारून चडश्यो कथा महाबळेश्वर सैल हांणी बरल्यात. हाचें पयलें वयलें कारण म्हळ्यार कारवार सामको वाठार जो सैमाच्या सुंदरतायेक लागून जाणवता. तशेंच तो एक सैम मोगी. ताचें 'निमणो अश्वत्थामा' हें पुस्तक सैम साहित्याचेर आदारून आसा.

1990च्या पयलींच्या कथानी सैमाचें वर्णन कथा फुलोवपाक लागून वापरिल्लें दिसता. हाचें एक कारण म्हणल्यार ह्या काळांत तितली उदरगत जाल्ली ना. तशेंच ह्या काळाच्या उपरांतच्या कथांनी सैमाचो नाश जाल्लो पळोवंक मेळटा. ताचे फाटलीं कारणा कथेनी मांडल्यांत. पर्यावरणाची जी स्थिती आयज जाल्या तांतूंत सगळ्यांत व्हडलो भाग 'जन' म्हणल्यार मनीस. कांय कथांनी लाचारीक लागून ह्या पांचूय घटकांचो नाश करपाचो निर्णय घेता जाल्यार कांय कथांनी आपल्या फायद्याक लागून तो वायट करतना दिसता.गोंयच्या पर्यावरणाची जी आयज स्थिती जाल्या ताचेर उणें प्रमाणान साहित्य तयार जालां. समाज, वंश, जात, लिंग ह्या आशयाचो कथा चड वाचपाक मेळटा. पर्यावरणाक कडेक काडून हेर सगळ्यो गजाली तातूंत आस्पाविल्ल्यो आसात. 'कवाथो', 'भुरगीं म्हगेलीं तीं' ह्या कथांनी एकूच पद्दतीचो आशय पळोवंक मेळटा तो म्हळ्यार मनशाचो झाडां प्रती मोग. जनावर वा मोनजातीचो विशय जेन्ना कथेंत येता तेन्ना 'खाटकागेर एक रात', 'नागसर्प', 'बसवो' ह्यो कथा प्रभावीपणान उठून आयल्यात.आयल्यात. तांतूंत

आमकां जनावरांचेर जाल्लो अन्याय पळोवंक मेळटा. मनीस कसो आपल्या परिस्थिती कडेन झुजता तें दिसून येता. पोटाक लागून आपल्यो भावना, मोग माया जनावरां प्रती विसरून वता तें दिसून येता. प्रकाश पर्येंकार हांचो 'वर्सल' कथा संग्रह वाचकांक हालोवन दवरता कारण तातूंतले विशय लेखकान खरपणान आनी वास्तवतायेक दरून बरयल्यात. सैमाच्या वेग वेगळ्या घटकांचो नाश तांच्या कथानी दिसून येता.

पर्यावरणीय समिक्षा पद्दत हालींच उदेवाक आयल्या खरी पूण ताचेर आनीक अभ्यास जावप भोव गरजेचें. गोंय सारकिल्ल्या राज्यांत सैम नश्ट जाल्लो पळोवंक मेळटा. हे विशय कथांनी उणे प्रकारान मेळटा. कथा सारकिल्लो प्रकार खूब वाचकांक आवडटा. तर साहित्यीकांनी जाता तितले प्रमाण ह्या विशयाचेर साहित्य निर्माण करप गरजेचें थारता. लोकांमदीं पर्यावरणाची जागृताय निर्माण करूंक तशेंच तांकां पर्यावरणाचे विशयांत फुडें अभ्यास करपाक प्रोत्सान दिता. कोंकणी कथांनी सैमाचे घटक दिसतात, तशेंच तांचो नाश जाल्लो पळोवंक मेळटा पूण तें सांबाळपाक उपाय एकूय कथांनी मांडिल्ले ना. सैमाचें चित्रण करतना ताचें बरें आनी वायट दोनूय भाजू चित्रावपाक गरजेच्यो.

# संदर्भ

## कोंकणी संदर्भावळ

1.तडकोडकार, सुमन. *कोंकणीं समिक्षणः तत्व आनी प्रयोग*.केदार प्रकाशन, आल्तिनो, पणजी-गोंय.1989.

2.कानोळकार, डॉ बाळकृष्णाजी. कोंकणी साहित्य समिक्षाःआव्हानां आनी मर्यादा.गोवापुरी, पणजी-गोंय.2015.

3.मावजो, दामोदर. *भुरगीं म्हगेलीं तीं*. अस्मिताय प्रतिश्ठान,मडगांव -गोंय.2001

4. मावजो, दामोदर. *गांथन*.जाग प्रकाशन. प्रियोळ, म्हाड्डोळ- गोंय.1971.

5.मावजो, दामोदर. *जागरणां*. म्हजें प्रकाशनः माजोड्डे- गोंय.1975.

6. मावजो, दामोदर. *सपनमोगी*. जाग प्रकाशन, प्रियोळ म्हाड्डोळ- गोंय.2014.

7. सैल,महाबळैश्वर. *निमणो अश्वत्थामा*. श्रीशैल प्रकाशन, आर्लें,राया- गोंय.2009.

8. सैल,महाबळैश्वर. *बायनेट फायटींग*. बिम्ब प्रकाशन,पर्वरी- गोंय.2005.

9. सैल,महाबळैश्वर. *दोन मुळाचें झाड*. श्रीशैल प्रकाशन, आर्लें,राया- गोंय.2011.

10.नायक, पुंडलीक. *मुठय*. सेवा समिती प्रकाशन,मडगांव-गोंय.1977.

11. नायक, पुंडलीक. *अर्दूक*. अपुरबाय प्रटर्स, फोंडे- गोंय.1989.

12. नायक, जयंती. *अथांग*. राजाई प्रकाशन, आमोणें- केपें.2002.

13. नायक, जयंती. *आर्त*. राजाई प्रकाशन, आमोणें-केपें.2019.

14. पर्येकार,प्रकाश. *वर्सल*. जाग प्रकाशन, म्हाड्डोळ-गोंय.2021.

15. भावे, भुषण. *खण-वेवसायाचेर आदारीत कांय कादंबर्यांचो अभ्यास,* गोंय विद्यापीठांत सादर केल्लो प्रबंध, 2015.

16. भावे, भुषण. *साहित्य विमर्श*. वाळपय- सत्तरीः शाल्मली क्रिएशन्स.2016.

**इंग्लीश संदर्भावळ**

a. Berry, Peter. *Beginning Theory- An Introduction to Literary and Cultural Theory.* New Delhi: Viva Books Private Limited.2018.

2. Gonzalez, Lorena and Gonzalez Sergio, Ecocriticism: Natural World in the Literary Viewfinder, IRWLE, Internet Edition

3. Alex, Rayson K. "A Survey of the Phases of Indian Ecocriticism."*CLCWeb: Comparative Literature and Culture* 16.4 (2014)

4. Glottfelty, Cheryll. *The Ecocriticism Reader: Landmarks In Literary Ecology.* The University of Georgia Press, Athens and London.1996

5. William. "Literature and Ecology: An Experiment in Ecocriticism." In Iowa Review 9, no. 1 (1978): 71-86.

**ऑनलायन संदर्भावळ**

1. Shikha Kumari- Ecocriticism in Indian Fiction.2011.

   https://worldlitonline.net/ecocriticism-in.pdf

2. Dr. Prakash Parienkar

https://www.unigoa.ac.in/uploads/confg_docs/20231220.113501~BioData_Parienkar.pdf

3. Mahabaleshwar Sail

https://youtu.be/vbDppaxJ4GE?si=xm3aQyomfnoXF7Sm

4. Dr. Jayanti Naik

https://youtu.be/Z0ml9lgIsvI?si=LKIM5weGVfwCL_A9

5. Pundalik Naik- Sahitya Darpan

https://youtu.be/fj2haRGBtCs?si=Z781XPPtTBJQ2JhM

6. https://epustakalay.com/book/49384-sahitya-lochan-by-shyam-sundar-das/

7. Cow Slaughter Act 1978

https://www.ahvs.goa.gov.in/sites/default/files/2022-06/Download%28165%20KB%29_0.pdf

8. http://dhangars.weebly.com/death-rituals-among dhangars.html#:~:text=In%20Dhangar%20community%20dead %20body,is%20done%20by%20the%20barber

9. https://www.thehindu.com/news/national/other-states/Goa-Government-to-bring-monkey-hunting-tribe-to-mainstream/article14245997.ece/amp/